नागशेराचे सूर

गोंय सरकार

कला आनी संस्कृती संचालनालय

पणजी - गोंय

RAJAEE PRAKASHAN
C/o Avadhut Amonkar
Amona, Kepem-Goa 403705

नागशेराचे सूर

नागशेराचे सूर

(गीतकाणयो)

संकलन:
जयंती नायक

गोंय सरकार
कला आनी संस्कृती संचालनालय
पणजी - गोंय.

COMPLIMENTARY COPY
Directorate of Art & Culture

नागशेराचे सूर

गीत काणयो

संकलन :
जयंती नायक

© गोंय सरकार,
कला आनी संस्कृती संचालनालय,
पणजी - गोंय.

उजवाडावपी :
संचालक,
कला आनी संस्कृती संचालनालय
पणजी - गोंय

छापपी :
सम्राट प्रिन्टर्स,
बाणस्तारी - गोंय.

मुखचित्र आनी रेखाचित्रां :
श्रीधर कामत बांबोळकार

पयली आवृती : १९९६

प्रती : एक हजार

Nagsheranchem Sur

Gitam Kanniyom

Compiled by :
Jayanti Naik

© Government of Goa,
Directorate of Art & Culture,
Panaji - Goa.

Publisher:
Director,
Government of Goa,
Directorate of Arts & Culture,
Panaji - Goa.

Printer :
Samrat Printers,
Banastarim - Goa.

Cover and Sketches :
Shridhar Kamat Bambolkar

First Edition : 1996

Copies : One thousand

मांडावळ

* प्रकाशकाचे वतीन ... (i)

* प्रास्ताविक : काणी सांगची जाणोऱ्यांनी रे! (iii)

* रेखाचित्र - अ (ix)

१. नाल्लबंद आनी माणकावंत १ - ६५

* रेखाचित्र - आ ६६

२. भोजराजा आनी साधू ६७ - ८४

प्रकाशकाचे वतीन ...

गोंय सरकारान कला आनी संस्कृती संवर्धन, जतन, आनी विकास सादपाखातीर जायत्यो येवजण्यो चालीक लायल्यांत. ह्या भूंयेचे सांस्कृतिक जिणेचेर जायतीं आक्रमणां जालीं तरीसुध्दा गोंयकारांनी आपलें सांस्कृतिक दायज तिगोवन दवरलां. कांय खिणांनी तें उत्सवांनी, लोकनाचांनी, लोककलांनी आमच्या नजरेक येता. आनी ह्या सगळ्या कलांची बुनयाद गांवगिऱ्या वाठारांनी घातिल्लेकडेन आसा. हाचें उदाहरण म्हळ्यार बाय जयंती नायक हिणें संकलीत केल्ल्यो केपें म्हालांतल्या कर्ल गांवच्यो ह्यो गीतकाणयो.

ग्रामीण वाठारांतल्या ह्या दुर्मिळ अशा प्रकाराची वळख करुन दिवपाचो यत्न प्रस्तूत लेखिकेन सरकाराच्या पालवान हो कथा-काणयांचो झेले गुंतून केला आनी गोंय आनी गोंयाभायर पावोवपाचें उद्दिश्ट सादलां. हें पुस्तक छपपाचें मनोगत जेन्ना लेखिकेन उक्तायलें आनी खात्याक हो विशय कळयलो त्या वेळार हे लिखाण उजवाडाक हाडप गरजेचें आनी हें तोंडी दायज पुस्तकाच्या रुपान भावी पिळगेमुखार येऊंकच जाय कारण हे गीतकथाकार सदांकाळ आमचेमदीं आसचेनात आनी आमकां तांचे कलेचो लाब मेळचोना हें नदरेमुखार दवरून हें पुस्तक छपपाक 'राज्य सांस्कृतिक सल्लागार समिती'च्या मान्यतायेन पावल उबाल्लें.

हो वावर मुखार व्हरपाक आनी छपणावळ चालीक लावपाक साबार लोकांनी, म्हळ्यार सल्लागार समितीचे वांगडी, लेखिका बाय जयंती नायक आनी खात्यांतले अधिकारी हांचो पालोव मेळ्ळा. तांच्यो मोलादीक सुचोवण्यो आनी मार्गदर्शन घेवुंनच हें पुस्तक पुर्णतायेकडेन पावलां, तांचें खातें आभारी आसा. हें पुस्तक थळाव्या लोकांक तशेंच संस्थांक उपयोगाचें थारतलें हांतूत इल्लोय दुबाव ना. गोंयचे कला आनी संस्कृती

संदर्भान ह्या पयलीय खात्यान पुस्तकां प्रकाशीत केल्यांत आनी हुया फुडेंय दर वर्सा गोंयच्या तरणाट्या तशेंच खडेगांठ बरोवप्यांचीं पुस्तकां छापून तांकां प्रोत्साहन दिवपाचो सरकाराचो हावेस आसा. अंदुचें 'नागशेराचे सूर' हें पुस्तक कला आनी संस्कृती खातें स्वतंत्र केल्या उपरान्तचें पयलें प्रकाशन जावन आसा.

ह्या फुडेंय संस्कृती संबदीत विशयांचेर आमचे बरोवपी फुडें सरून ह्या येवजणेचो लाब घेतले आनी खात्याक अशें साहित्य प्रकाशीत करपाची संद दितले जेणेकरून सांस्कृतिक मळ सदांकाळ परजळीत उरतलें अशीच अपेक्षा!

एम्. व्ही. नायक

संचालक,

पणजी - गोंय. कला आनी संस्कृती संचालनालय.

प्रास्ताविक :

काणी सांगची जाणोऱ्यांनी रे!

लोककाणयांची परंपरा भारतात खूब पोरनी. काणयो सांगप्याक भारतीय समाजांत मान व्हड. 'वाणी' आनी 'कथा' हांकां भारतांत देवत्वाचो मान सांगला. काणयांमदीं अतिमानुशी शक्ती आसता असो समज आसा. धर्मविधिकडेन तांचे नातें जोडलां. इत्सीत फळप्राप्तीखातीर आनी अशूभ निवारणाखातीर काणयो सांगपाची भारतीय समाजांत परंपरा आसा. काणयो 'गद्य' आनी 'पद्य' अशा दोन प्रकारांनी सांगतात. गोंयात गद्य प्रकारान सांगपाचे काणयेक 'घटाकाणी' अशें म्हण्टात जाल्यार पद्यान सांगपाच्या प्रकाराक 'गीतकाणी' अशें म्हण्टात. कांय कथानकां घटांनीच सांगपाची आसतात जाल्यार कांय गावन. कांयवेळार एकूच कथानक दोनय प्रकारांनी सांगतात. कांय घटाकाणयांत एक-दोन कडवीं गीतांची येतात.

गीतकाणी हो एका काळावेलो अत्यंत लोकप्रिय प्रकार, पूण आज तो दुर्मीळ जायत गेला. एकाद्र्या गांवांत तो मेळटा पूण सात कोनशांमदीं दडिल्लो. ताका थंयच्यान सोदून काडून लोकांमुखार उबो करपाची गरज आसा. आजमेरेन गोंयच्या गीतकाणयांचें एकूय संकलन उजवाडाक आयिल्लें ना. एक-दोन काणयो हेर दुसऱ्या प्रकाराच्या संकलनात उजवाडाक आयल्यांत पूण तांतल्यान तांच्या स्वरूपाचे सुस्पश्ट दर्शन घडना. तें जर घडटलें तर गोंयच्या तळा-गाळांनी भोंवन गीतकाणयेचे वेग-वेगळे प्रकार आनी स्वरुपां सोदून काडचीं पडटलीं आनी ते नदरेंतल्यान हें पुस्तक म्हळ्यार एक लहानसोच यत्न.

गीतकाणी वा कथागीत ह्या प्रकाराक इंग्लिश भाशेंत 'Ballad' अशें म्हण्टात. भारत तशेंच भारताभायर ह्या प्रकाराचीं सुत्रां दादल्यांकडेन आनी मुखेल करून वेवसायीक लोकगायकांकडेन मेळटात. क्वचीत प्रमाणांत हो प्रकार बायलांकडेन मेळटा आसलो तरी तो 'हौस' म्हण मेळटा. गीतकाणयेचो प्रकार खूब पोरनो. प्राचीन भारतांत सूत, मागध, चारण, बंदी, कुशीलव, वैतालिक, भाट आनी जोगी ह्या जमातींत लोकगायकांची परंपरा आसून ह्या जमातीचे दादले लोककथागीतां गावन आपल्या कुटुंबाचें पोट भरतल्याची माहिती मेळटा. आजय हांतल्यो कांय जमाती अस्तित्वांत आसात. महाराष्ट्रांत वासुदेव, गोंधळी, भराडी,

पोतराज, जोगती, वाघे अश्यो कांय जमाती आपल्या देवांची कथागीतां गावन आपल्या पोट-पाण्याची वेवस्था करतना दिसतात.

गोंयांतय लोकगायकांची परंपरा आशिल्ल्याची माहिती मेळटा, मात महाराष्ट्रांतल्या लोकगायकांसारके ते अमुकच देवांची कथागीतां गायताले काय कितें हाची माहिती ना. काणकोण तालुक्यांत कांय गांवांनी शिगम्याच्या उत्सवाक गड्यांक होरावपाखातीर मांडार खाशेलें गायन करपाची चाल आसा. हें गायन करप्याक गांवगाड्यांत 'गाणेल' म्हण वळखतात.

गोंयांत हिंदू धर्म मानपी, गावडी वा कुळंबी जमातीन वसयिल्ले कांय गांव मेळटात. ह्या गांवांत लोकगायकाची भुमिका त्याच जमातिंतलो एकाद्रो दुसरो दादलो करतना दिसता. बनवड, गुडुल्यांची गाणी, तशेंच धार्मिक काणयो तो आपल्या समाजाखातीर गायता. कांय गांवांनी आजय अशा गायकांच्या कुटुंबांक पोसपाची जबाबदारी ताच्या समाजान घेतिल्ली दिसता. ताच्या गायनाक सूर दिवपाचें काम ताच्या भावकेंतले हेर दादले करतात. सूर दितां दितां केन्ना केन्नाय कांय काणयोय तें आत्मसात करतात. मात धार्मिक काणयो गावपाची तांकां मान्यताय नासता.

Ballare ह्या लॅटिन भाशेंतल्या उतरावेल्यान इंग्लिशींतले Ballad हें उत्तर घडलां अशें विद्वानांचें मत आसा. Ballare म्हळ्यार नृत्य करप. ताचेवेल्यान नृत्याच्या सांगातान गावपाच्या कथागीताक Ballad हें उत्तर वापरांत हाडलां. "लोकसमुहांत मौखीक स्वरुपांत घोळणुकेंत आशिल्लीं वर्णनात्मक आनी निवेदनात्मक गीतां म्हळ्यार लोककथागीतां!" अशी फॅक सिजवीक नांवाच्या एका पाश्चात विद्वानान लोककथागीतांची वा गीतकाणयांची व्याख्या सांगल्या. (लोकसाहित्याचे स्वरुप - डॉ. प्रभाकर मांडे, पृ. २६७)

ह्या संग्रहांत केपें तालुक्यांतल्या, दोंगरमाथ्यार वशिल्ल्या कर्ल नांवाच्या गांवांत मेळपी दोन गीतकाणयांचो आस्पाव आसा. आदिम जिवन पध्दतीची प्रतिकृती आशिल्ल्या ह्या गांवात ह्यो काणयो 'श्री. जानु गांवकार' हे गायतात. 'काणयेकार' म्हण तांकां आशी - कुशीच्या गांवांत नामना आसा. तांच्या सादरीकरणांत नृत्य ना, पूण नाट्य आसा. गायन आनी कथन ह्या प्रकारांच्या आदारान शाहिर जसो पोवाडो गायता, ते धर्तीचेर ते काणयो सादर करतात. डॉ. प्रभाकर मांडे ह्या महाराष्ट्रांतल्या लोकवेद विद्वानान लोककथागीतांचें जें वर्गीकरण केलां तांतूत अशेतरेच्या गद्यपद्यमिश्रीत कथांचो आस्पाव केला.

पूण गोंयांत नृत्याच्या आदारान कांय गीतकाणयो बायलांनी सादर

केल्ल्यो पळोवंक मेळटात. 'चांगुणा नार', 'निळकंठ राजा', 'निळंबा कन्या', 'श्रावण बाळ', ह्यो तांतल्यो कांय जावन आसात. शाहिरी थाटांत कथानक सादर करपाचें दादल्यांचे मक्तेदारी आशिल्लें गीतकाणयेंचें क्षेत्रय तशें बायलेक अनवळखी ना. वाळपय सारख्या गांवांत हो प्रकार बायलांनी सादर केल्लो दिसता. मात कर्ल वा ताच्या भोंवतणच्या गांवांत, वेळीप-गांवकर समाजांत हो प्रकार बायलो हाताळनात.

काणयो गावपाचो अमुकच काळ-वेळ थारायिल्लो आसता. कर्ल गांवय ह्या नेमाक धरून चलता. वैशाखान काणयो गायनाक सुरवात जातां, चवथीन काणयो सोंपोवपाच्यो आसतात. चवथी उपरांत पीक. पिकेर गायल्यार भीक लागता असो समज आसा. काणयो दिसाच्यो गायनात. काणयांचे श्रोतो दादलो-बायलो दोगांय आसतात. काळोख पडलो तसो जेवन - खावन लोक कार्यावळीच्या सुवातेर जमता. सगळे जमलें हाची खात्री करून गायनाक सुरवात जाता. दीस उजवाङ्यार ही कार्यावळ सोंपता. भौशीक उत्सवाच्या वेळार ही कार्यावळ चडशी जाता. कर्ल गावांत श्रावण सोमारांक शिंया पुरसाच्या देवळांत काणयो गावपाची चाल आसा. ह्या वेळार गावपाच्यो काणयो पुराणकथांचेर, देवा-दिकांचेर आसतात. अशावेळार गायनाक सुरवात करचे आदीं देवाक दिवो पेटोवन नाल्ल-पड दवरपाची आसता. अनवाळेंपण सांबाळपाचें आसता. गायनाक सुरवात जाली म्हण्टकच कार्यावळ सोंपसर बशिल्ल्यामदल्यान कोणेंच अर्दारच वचूंक जायना असो संकेत आसा. जाण्ट्यावांगडा भुरग्यांय काणयो आयकूंक जमतात.

मनोरंजनाच्या उद्देशानय कांयवेळार गीतकाणयांची कार्यावळ करतात. केन्ना ती एकाद्र्या गांवकाराच्या घरांत जाता तर केन्ना काणयेकाराच्या आंगणांत जाता. ह्या वेळार गावपाच्या काणयांचे विशय सामाजिक वा काल्पनिक आसतात. राजा-राणी हो काणयांतलो म्हत्वाचो घटक. मुखेल गायकाक सूर धरपाखातीर कमीत ते दोन मनीस लागतात. थोडी-भोव तांकाय ह्या गायन प्रकाराची तोंड वळख आसपाची गरज आसता. ते काणयेकाराच्या दाव्या-उजव्या हातीक बसतात. देवाक नमन करून काणयेक सुरवात जाता.

"दीस गेला कामा धंद्या रे,
रात आली आनंदाची मूं"

अशें म्हणत काणी मार्ग चलता, कसल्याच वाद्यांचो आदार नासतना सुरांच्या पावसांत वातावरण चिप्प जाता. रातच्या शांत वातावरणांत वाऱ्याचेर हुबत काणयेकाराचो खणखणीत आवाज आसमंत गाजयता. थोडेशें गायन,

थोडेशें कथन, अशा स्वरुपांत काणी मुखार वता. हें कथनय ताल आनी लयेंत आसता. सांगताक बशिल्ले गायनाच्या वेळार ताच्या वांगडा सूर आळयतात, निवेदनाच्या वेळार, 'हये!' 'शाबास!', 'भले जावं!', 'आरे म्हाज्या बाबा!', 'आता रे तो काय करतलो?' 'जावंदी!', 'वचूंदी!', 'ठो!' ह्या सारख्या उतरांनी तांच्या गायनाक उस्फुर्तपणान दाद दितात. केन्ना उल्याक कुंकारय दितात. ताका लागून काणयेंत रंग भरता, नाट्यपुर्णता येता, विनोदय घडून आयकुवऱ्याचें मनोरंजन जाता.

आयकुवप्यांनीय 'हय मांडचो' अशी काणयेकाराची अपेक्षा आसता. कारण ताचेवेल्यान आपले काणयेंत लोक समरस जाल्यांत म्हणपाचो ताका निर्वाळो मेळटा आनी तो आपली काणी अदीक खुलयता. काणयेकार जितलो अभिनय संपन्न तितले काणयेंत नाटयपूर्ण प्रसंग चड. कांय प्रसंगांचें काणयेकार हातवारे आनी नकलांच्या आदारान एकपात्री प्रात्यक्षिकय करून दाखयता.

काणयेकाराच्या निवेदनाचेर ताच्या सांगात्यांनी उच्चरिल्ल्या दादरूपी प्रतिक्रियेक एक उद्दीष्ट आसलें तरी ह्या पुस्तकाचे संहितेंत तीं उतरां दिवपाचीं टाळ्यांत, कारण तीं प्रसंगानुरूप अशीं येता आशिल्ल्यान सादरीकरणाच्या वेळारच प्रयोजनसिध्द दिसतात. वाचपाच्या वेळार घडये तीं काणयेच्या प्रभावाक बाधा हाडूंक शकतात, म्हण हांगा दिलींनात. मात काणयेंतल्या पद्याच्या भागांत कडव्याच्या अखेरेक येवपी 'रे', 'मूं', 'गे', 'गो' ह्या सारकी उतरां दिल्यांत. हीं उतरां वापरून काणयेकार स्वरांचे चड-उतार घडयता, काणयेक ताका लागून आकर्शकता येता, आनी काणी गेय जाता.

सर्वसादारणपणान काणी एकाच तालसुरांत आनी मंदगतीन मुखार वता. तरीपूण कांय प्रसंगांनी सूर बदलतात, गायनाची गतीय वाडयतात. काणयो सुरू करपाच्यो जश्यो कांय वोळी आसतात, तश्योच सोंपोवपाच्योय आसतात. गांवाप्रमाण आनी काणयेप्रमाण तांतूत बदल दिसता.

भरपूर अनुप्रास, समास आनी पुनरावृत्ती हीं गीतकाणयेचीं खास लक्षणां. पुनरावृत्ती केन्ना प्रसंगांची आसता, तर केन्ना उतरांची. एकूच वोळ दोन फावट गावन गीताचें कडवें घडटा. खुबशा काणयांनी अखेरेक पुराय काणी संक्षीप्तपणान गावपाची चाल आसा. ह्या संग्रहांतले 'नाल्लबंद आनी माणकावंत' हें काणयेंत असो प्रकार मेळटा.

मनोरंजन, उद्‌बोधन आनी धर्मप्रचार हीं गीतकाणयेचीं मुखेल प्रयोजनां, ह्या संग्रहांत आस्पाविल्ल्या गीतकाणयांतय तीं आसात म्हणपाचें सत्य होलमतां.

कल्पकता, अद्‌भुदता आनी कलात्मकता हांचो मेळ सादिल्लोय ह्या संग्रहांतल्या काणयांत पळोवंक मेळटा. आद्य, मध्य आनी अंत ह्या गीतकाणयेच्या तंत्राकय त्यो बांदून आसात.

दोनय काणयांचो अभ्यास केल्यार लोककाणयांचे काय खोशेले कल्पनाबंध आमकां सांपडटात. १. दैवाक लागून मनीस सुखी वा दुखी. २. जादुच्यो अद्‌भूत घडणुको. ३. हुशार राजपुत्र. ४. सुश्ट वा दुश्ट म्हातारी. ५. सुश्टांचे दुश्टांचेर जैत. ६. राजांचे शिळांत रुपांतर. ७. जादुगाराचें शेवण्यांत मरण बी हे तांतले कांय जावन आसात.

'नाल्लबंद आनी माणकावंत' ही ह्या संग्रहांतली मुखेल काणी कांदबंरीचो आवाठ आनी कथाबीज तिका आसा. ज्या समाजांत ती घोळणुकेंत आसा त्या समाजाचे कालचे आनी आजचे आचार-विचार घेवन ही काणी आयल्या. लोकभाशेची गिरेस्तकाय तांतूत आसा. कल्पनाविलासाबरोबर एक विशाळ जिवनदर्शन ती घडयता. हे काणयेंत असामान्य अश्यो घडणुको घडटात, सादारण मनशाचे बुध्दीक पेलचेनात अशें प्रसंग येतात. देखीक, हे काणयेंत दोन राजकुंवर सटये दिसा घोडयेर बसून राज्यांतल्यान भायर सरून वतात. तेच रातचो एकटो सोरोप चाबून मरता जाल्यार दुसऱ्याच्या रुपाक भुलून तरणी-ताठी राजकन्या ताका आपल्यागेर घेवन वता. सोरोप चाबिल्ल्याक गारुडी जिवो करता, तो भटागेर बाळपण भोगता आसतना ताचो भाव ते राजकन्येकडेन लग्न जावन राज्य आनी स्त्रीसूख भोंगता. आनीकय जायतें हे काणयेंत आसा. वयर वयर पळोवपाक निकटो कल्पनाविलास भासपी हे काणयेंत आदल्या काळावेल्या लग्नपध्दतीचे आनी समाजाच्या हेर जिवन अवशेशांचें दर्शन घडटा.

'भोजराजा आनी साधू' ही काणी आकारान ल्हान, भाशाय थोडी सोपी, पूण आदल्या काळावेली पंगड विवाह पद्धती आनी कौटुंबीक एकवट प्रथेचेर बेसबरो उजवाड ती घालता.

ह्या संग्रहांत 'टॅक्शींनी', 'जिपिंनी', 'एंप्रेगद' ह्या सारकीं उतरां आयल्यांत. आधुनिकतेचीं साधनां गांवापासून पयस आसलीं तरी तीं गांवाक अनवळखी नात हें सत्य हीं उतरां सांगतात, देखून ह्या संग्रहांत ती जाणीवपूर्वक दवल्ल्यांत. एंप्रेगाद सारख्या उतरांतल्यान पोर्तुगीज भाशेचो प्रभावय दिसता.

लोकभाशेचें एक गिरेस्त दायज ह्या काणयांत आसा. गोंयच्या समाजाचेर आशिल्लो कन्नड तसोच मराठी भाशेचो आनी संस्कृतीचोय प्रभाव ह्या काणयांतल्यान व्यक्त जाता. देखून ह्या काणयांचो भासशास्त्रावांगडा समाजशास्त्र

आनी मानववंशशास्त्राच्या नदरेंतल्यानय अभ्यास जावपाची गरज आसा.

गोंय सरकारच्या 'कला आनी संस्कृती संचालनालयान' हें पुस्तक छापपाचें मान्य करून गोंयच्या लोकवेद अभ्यासाक एक म्हत्वाचें योगदान दिला, देखून हांव संचालनालयाचें, तशेंच संचालक श्री. एम्. व्ही. नायक हांचें काळजांतल्यान उपकारी आसा. संचालनालयाचे सहाय्यक संचालक श्री. ए. के. लोटलीकार आनी सांस्कृतिक आयोजक श्रीमती धुमे हिंवूय हें पुस्तक रूपकाराक हाडपाखातीर खूब वावुरल्यांत, तांचेंय हांव आभारी आसा.

संचालनालयान हस्तलिखीत मान्य केल्या उपरांत गोंयच्या लोकवेद क्षेत्रांतले दोग मानेस्त श्री. विनायक खेडेकार आनी श्री. कमलाकर म्हाळशी हांचेकडेन तें अभिप्रायाखातीर धाडलें. दोगांयनीय म्हत्वपूर्ण सुचोवण्यो करून तें वेळार परतें दिलें देखून पुस्तक बेगीन येवप शक्य जालें. तांचे उपकार कशे मानूं? लोकवेद क्षेत्राची आडखळीची वाट चलतना तांच्या मार्गदर्शनाची म्हाका सदांच गरज आसा.

जांच्या गळयांतल्यान पाझरिल्ल्या सुरांचो अक्षरी रूपकार म्हणजेंच हें पुस्तक, ते श्री. जानु गांवकार आनी तांचे सांगाती श्री. सगुण गांवकार आनी श्री. भिकारो गांवकार हांचें रीण म्हज्याच न्हय तर गोंयचे दर एके व्यक्तीच्या माथ्यार आसतलें. लोकसंस्कृतीच्या ह्या वारसदारांक म्हजें नमन!

कर्ल गांवांतल्या जिबेवेल्या साहित्याक हांवें दिल्ल्या अक्षरांच्या रूपकाराक श्री. श्रीधर बांबोळकार हांणी चित्रांची सजावट दिवन जाल्यार सम्राट प्रिन्टर्सान मुद्रणाचो आकार दिवन 'नागशेराचे सूर' स्वरूप फावो केलें. तांच्याय हांव उपकारांत आसा.

'नागशेर' म्हळयार पुंगी, एक लोकवाद्य. ताच्या सुरांत नागांक मंत्रमुग्ध करपाची शक्त आसा. ह्या संग्रहांतले एके काणयेंत ताचो प्रत्यय येता. नागशेराची ही तांक म्हाका गोंयचे गीतकाणयेंत गावली. तिच्या सुरांचेर तल्लीन जावन धोलपी गोंयचो जनलोक हांवें पळयलो. ह्या पुस्तकरूपी नागशेराचे सूर आयकून लोकसंस्कृतीच्या अभ्यासकांचीय तीच गत जावं म्हण मागतां!

आमोणें - केपें - गोंय. **जयंती नायक**

रेखाचित्र - अ

...असो काय वयर तो येयलो नी दारवयत लिपयत गेलो आनी त्या माणकावंत कुंवराल्या दाया पायां किरांगळे दंश काय केला!

१. नाल्लबंद आनी माणकावंत

गावपी : श्री. जानु गांवकार

सांगाती : श्री. सगुण गांवकार,
श्री. भिकारो गांवकार

दीस गेला कामा - धंद्या रे
दीस गेला कामा - धंद्या मूं.

रात आली आनंदाची रे,
रात आली आनंदाची मूं.

पटी वाचूं गोयिंदाची रे,
पटी वाचूं गोयिंदाची मूं.

सांग सांग रामा काणी रे,
सांग सांग रामा काणी मूं.

काणी सांगची जाणोत्यांनी रे,
आयकों बसची जनलोकांनी मूं.

कंथा[1] वर्तू[2] राजाची रें,
कंथा वर्तू राजाची मूं.

बरो इक्रामंत नी राजा रे,
बरो इक्रामंत नी राजा मूं.

तेची तारामंत राणी रे,
तेची तारामंत राणी मूं.

: अशें काय राजाक जेवूंक - खावूंक काय अशातरेन पुश्कळ तर आसा! अशे काय तीळ-भाकर, काय नारींग - सुरींग, आबोल्यो - शेंवत्यो, जायो-जुयो, ह्या तरेन राजाक पुश्कळ तर आसा!

राजाक भुरगें ना तें बाळ रे,
राजाक भुरगें ना तें बाळ मूं.

राजा पुत्रा वाटेन दुखी रे,
राजा पुत्रा वाटेन दुखी मूं.

: अशें काय राजा पुत्र ना फळ म्हण्टा, राजा काय निर्मळ वांझो तर जाला!

राजा निर्मळ तो वांझो रे,
राजा निर्मळ तो वांझो मूं.

: असो काय सगळो लोक काय म्हण्टा की राजा निर्मळ वांझो, राजालें हातचें अन्न करनयो.

---

१ - कंथा = कथा
२ - वर्तू = सांगू

असो लोक नी उलयता रे,
असो लोक नी उलयता मूं.

राजा पश्चेताप[३] जाला रे,
राजा पश्चेताप जाला मूं

: असो काय म्हण्टा येतलो लोक आपल्या दारां काय अन्न-उदक घेवपाचो, आता काय अन्न-उदक करनये अशें म्हण लोकांनी काय बुद्ध तर केल्या. आनी ह्या वटेन राणयेक कोण वर्तुमान तर जालां, येतल्या भिकाड्ड्यांक शिंपल्यांनी[४] काय द्रियें[५] वांटोक तर लागल्या.

बरें द्रियें नी वांटता रे,
बरें द्रियें नी वांटता मूं.

: अशें काय लोकां घायल्यार म्हण्टा की लोक नांव काय काडटलो, फाल्यां मरतलीं नी लोक फाटल्यान नांव तर घेतलो.

अशें राणये मनां जालां रे,
अशे राणये मनां जालां मूं.

: अशें काय येतल्या भिकाड्ड्यां म्हण्टा की शिंपल्यांनी ती द्रियें काय भांगर म्हण्टा ती वांटून तर सोडटा.

हिवूं खबर कळला रे,
त्या इंद्रभवनां कैलासां मूं.

: अशी काय इंद्रभवनां देवां काय खबर तर कळ्ळा. आनी राज्यां आसा

---

३ - पश्चेताप = पश्चाताप
४ - शिंपल्यांनी = सुपल्यांनी
५ - द्रियें = द्रिव्यें, द्रव्य

तें राणी म्हण्टा आसलेले तें राज्यां दान वांटोन काय सोंपोवंक तर लागल्या.

देवा घात नी घडला रे,
देवा घात नी घडला मूं.

: अशें काय देवांनी कोण वर्तुमान तर केला, बुद्धीचे मार्ग काडले आनी अशें काय शनीदेवाक खाली तर काडला.

बरो सुर्या धल्ला नी रूप रे,
बरो सुर्या धल्ला नी रूप मूं.

खाक्यां माल्ला देवा शंख रे,
खाक्यां माल्ला देवा शंख मूं.

हातां घेतला तिरसूळ[६] रे,
हातां घेतला तिरसूळ मूं.

: अशी काय खांदार उडयल्या झोळी नी अशातरेन म्हण्टा गांवार तर भोंवत पवन त्या राज्यांत तर पावला.

बरो राज्यांत पावला रे,
बरो इक्रामंत राजा मूं.

: असो काय इक्रामंत राजा दारां येयला नी बरो काय आंगणा उबो रावून शंखा फूंक तर घातल्या.

---

६ - तिरसूळ = त्रिशूळ, त्रिशूल

राणी शिंपलेंभर द्रियें घेयला रे,
माणिक मोतयांनी भरिला मूं.

: अशी काय घेवून काय ती आंगणां तर येयल्या.

जोगव्यान पदर पातळयला रे,
जोगव्यान पदर पातळयला मूं.

: अशीं काय त्या जोगव्या पदरांत म्हण्टा तीं, माणिक-मोतयां म्हण्टा तीं, सात द्रियें म्हण्टा तीं तर घायल्या. आनी तेन्ना म्हण्टा ती भिक्षा काय परती ते कन्ये तर करूंक तर लागला.

म्हाजे राणये न्हू तूं राणये गे,
म्हाजे राणये न्हू तूं राणये गे.

: अशी काय कोणू म्हण्टा दारां येयल्यार म्हण्टा मोतयां घालतालीं, मोठें काय दान दिलें आनी तूं ह्या तरेन म्हण्टा भाग्य पुशकळ, तें ह्या तरेन तर कित्या वांटो तर लागल्या.

कितें सांगो जल्मा खबरी रे,
कितें सांगो जल्मा खबरी मूं.

:अशें काय जगाक घायल्यार फाल्यां मरतले आनी आमचें नांव तर घेतले, आनी आमकां पुत्र ना फळ म्हण्टा, कन्या ना दान म्हण्टा, ह्या तरेन म्हण्टा आमी निर्मळ वांझे तर जाल्या. आनी ह्या तरेन म्हण्टा सगळें आसून कित्या उपेग काय, घराकडेन काय दवरून कित्या उपेग तर ना.

अशें जोगव्याक राणयेन सांगला रे,
अशें जोगव्याक राणयेन सांगला मूं.

: आगे राणये, ह्या तरेन जाल्यार काय तुका आपूण एक पुत्र-बाळा फुडें मार्ग तर सांगता.

तोवूं आयकून तो घेवूं रे,
तोवूं आयकून तो घेवूं मूं.

: असो काय आता म्हुणों लागलो की राजा येता आनी तुज्या स्वामी - पती, भरतारा काय तुवें तर सांगो तर जायें. आनी अशें त्या राजतळ्यांत बांभळी कांट्यार काय रावो तेणें देड-म्हयनो काय बसों तर जायें.

देड पांयार नी जायें रावों रे,
देड पांयार नी जायें रावों मूं.

: अशें अन्न नी उदक पासून करनासतना फुडें पुत्र-बाळा मार्ग तर मेळटा.

इतलें जोगव्यान नी सांगला रे,
इतलें जोगव्यान नी सांगला मूं.

: इतलें सांगला नी राणये म्हण्टा की, पळय म्हण्टा की राजा येता काय जाल्यार, राणी काय फाटीं वळोन पळोवंक तर लागल्या.

शनी देव गुप्त जाला रे,
शनी देव गुप्त जाला मूं.

: अशी काय आपल्यान म्हण्टा ती, झोळी म्हण्टा ती गुप्तखंडा मार्गा तर व्हयल्या आनी ह्या वटेन म्हण्टा तो राजा दनपारावयलो राजसभेंतल्यान घरी तर येयला.

आपले कपडे नी काडिला रे,
आपले कपडे नी काडिला मूं.

: अशें काय कपडे काडिले न्ही न्हाणये काय सात आंगोळ्यो तर केल्या.

अन्न ग्रासाक बसला रे,
अन्न ग्रासाक बसला मूं.

: असो काय जेवून - खावून आपल्या पलंगार काय बसला आनी पान - विडे काय मोडूंक तर लागला. आनी तेन्ना राणी जेवली - खाली काय पलंगार गेली आनी आपल्या स्वामी - भरतारा काय खबरी काय वर्तुमान सांगोक तर लागल्या.

आपल्या फुडल्यो त्योवू खबरी रे,
आपल्या फुडल्यो त्योवू खबरी मूं.

: आरे स्वामी - पती, भरतारा म्हुणों लागली नी, आमकां पुत्र-फळ मेळटलें जाल्यार त्या राजतळ्यांत देड म्हयनो पासून त्या बांभळी कांट्यार देड पांयार रावों जायें.

त्यावू फुडें पुत्र मेळटा रे,
पुत्र-फळाचो तो मार्ग मूं.

: अशातरेन पुत्रबाळा मार्ग मेळटलो जाल्यार देड - म्हयनो पासून म्हुणों लागलो की आपूण तर रावता. आनी तेदेच जेवणार म्हण्टा आपूण उठलो नी राजतळ्यांत तर चल्लो.

राजा तळ्यां तो चल्ला रे,
राजा तळ्यां तो चल्ला मूं.

: असो काय राजतळ्यांत गेलो आनी बांभळी कांटो माल्लो नी, मोठो देड - पांयार काय त्या राजतळ्यांत तर आसा.

बरो तळ्यां तो आसा रे,
बरो तळ्यां तो आसा मूं.

: असो काय अन्न ना उदक म्हण्टा की, शी म्हण्टली शिल्ली ना, का म्हण्टलो कावळो ना, ही तरा काय त्या तळ्यांत तर घडटाली. असे करता पासून दोन एक म्हयनो गेलो आनी सव्वा एक म्हयनो पावत तर येयला.

देड म्हयनो सपरूण जाला रे,
देड म्हयनो सपरूण जाला मूं.

: असो काय देड - म्हयनो सपरूण तर जाला आनी मोठे रातीचें कोण वर्तुमान तर त्या तळ्यामध्यां तर घडटा.

विशणु प्रशोण[७] तळ्यां जाला रे,
विशणु प्रशोण तळ्यां जालां मूं

: आरे राजधनया म्हुणों लागलो की, ह्या राजतळ्यांत म्हुणो लागलो की, देड पांयार म्हुणों लागलो की, तूं ह्या तरेन कित्या पासोन तर आसा.

तसलीं कामां नी घडला रे,
तसलीं कामां नी घडला मूं.

: आरे म्हुणों लागलो की, आपल्या म्हुणों लागलो की कोणें सांगला, पुत्रफळा मार्ग मेळटा म्हूण काय सुर्यान सांगला, ते पासत म्हुणलो की आपणें देड-म्हयनो हे तरेन तर काडला.

---

७ - प्रशोण = प्रसन्न

पुत्रफळा मार्गा खातीर रे,
पुत्रफळा मार्गा खातीर मूं.

: आरे पापया म्हुणों लागलो की, देड पांयार म्हुणोन की तळ्यांत उबो रावल्यार पुत्रफळ मेळटा काय परतून काय इचार करूंक लागला. आनी म्हुणों लागलो की, जोगयान सांगला म्हुणोन की आता ते पासत आपूण ह्या तळ्यांत त्रास तर काडटा.

बरो विश्णु नी उलयता रे,
बरो विश्णु नी उलयता मूं.

: आरे म्हुणों लागलो की हें फळ काय एक घे, बरें अमृताचे फळ दिलें, आनी त्या नंतर चंद्र उदेशीं बरें आयतारा - बुदवारा तुमी दोगांयनीय वांटोन तर खावपाक जायें. तुमी काय संध्या-आंगोळ्यो करात आनी बरेतरेन मौजेन आनंदान बसोन तर खायात.

बरें फळ नी देयिला रे,
बरें फळ नी देयिला मूं.

: अशें काय फळ दिला आनी मोठो काय राजा खाली काय गेला आनी दिसतना मोठो विश्णु काय तळ्यांत गुप्त तर जाला.

विष्णु देव गुप्त जाला रे,
विश्णु देव गुप्त जाला मूं.

: असो काय सोमारा दीस काय गेलो आनी परतून मंगळारा दीस काय गेलो.

बरो बुधवाराचो दीस रे,
बरो जल्म्याचो[८] तो दीस मूं.

: अशें काय बुदवारा दिशी काय उदक-पाणी न्हावलें नी मोठें काय तीर्थ खावन चडटे वेळावेलें फळ काय खावोंक तर बसला. आनी राणी नी काय राजान बसोन काय मोठें वांटून तर खायलां. आनी इतलें करून राजा आसा तो राजसभे काय चलोंक तर लागला.

राणी सुशेग नी आसा रे,
राणी सुशेग नी आसा मूं.

दीस राणये भरों लागल्या रे,
दीस राणये भरों लागल्या मूं.

: असो काय एक-दोन, चार - पांच म्हयनो काय लागला आनी त्या नंतर म्हण्टा स-सात म्हयन्यार आसा तीं राजान फुलां माळ्ळीं आनी मोठो काय आठवो तर लागला.

राणये दीस नी भरला रे,
राणये म्हयने नी लागला मूं.

: असो काय णवो म्हयनो भरून काय णव दीस जाला आनी णव घटको भरून काय राणये सपरूण काय जाला.

राणये पिडा नी चाळवला रे,
राणये पोटखणें लागला मूं.

: अशें काय राणये पोटखणें मोठें जालें नी ती राणी मोठी काय प्रशूत[९] तर जाता.

---

८ - जल्म्याचो = जल्मीदेवाचो
९ - प्रशूत = प्रसूत, बाळंत

बरे मध्यांनीचे राती रे,
राणये पोटखणें चाळवता मूं.

: अशी राणी आसा ती मोठी काय प्रशूत तर जाली आनी राणयेगेर अशे काय मोठे दोन बाळ काय जल्मा तर येयल्या.

बरे सुंदर ते कुंवर रे,
बरे सुंदर ते कुंवर मूं.

: अशे काय सुर्याच्या वर्णाचे, मुठां धल्ल्यार काय मूठभर जाता, काळखां धल्ल्यार उजवाड काय जाता. कुंवर काय उदका इतके नितळ, पानां इतके पातळ, कपली काय चांद-सुर्य नियाळटा आनी बोमलीं काय रत्नां तर जळटा. ह्या तरेन काय ते कुंवर तर आसा.

बऱ्यो सुर्या सारक्यो मृती[१०] रे,
बऱ्यो सुर्या सारक्यो मृती मूं.

: अशातरेन म्हण्टा की कुंवर काय जल्मा येयल्या, आनी फाल्यावेलो उठ्ठा आनी राजा काय परधानागेर[११] चलता. आरे, परधाना म्हुणों लागलो की भटा-जोयशागेर वच आनी नांवरस काय कुंवराली पळोवन तर येया.

बरो परधान नी तोवूं रे,
चल्लो भटांल्या नी वाड्यार मूं.

: असो काय भटागेर गेला आनी मोठी काय आपली नांव - नांवरस पळोवंक तर लागला.

---

१० - मृती = मुर्ती
११ - परधानागेर = प्रधानागेर

बरी येता कुंवरा नांवरस रे,
बरी येता कुंवरा नांवरस मूं.

: असो काय पयलीं जाला तो नाल्लबंद, आनी तेचेफाटल्यान जाला तो माणकावंत अशी म्हुणोन काय नांवरस तर येयल्या.

बरी नांवरस ती येयल्या रे,
बरी नांवरस ती येयल्या मूं.

: अशी काय नांवरस येयल्या म्हण्टा की, जातक काय पळयल्यार कोण वर्तुमान तर जालां.

कायी भटाक नी मेळला रे,
भटान तोंड काळें नी केला मूं.

: आनी अशातरेन म्हण्टा की इचार काय परिणाम करूं नाका रे भटामामा, तूं म्हण्टा कित्यापासत तोंड काळें तर केला. शेट्ट! म्हुणों लागलो की आपणें कांय तर, बेश्टेंच म्हूण तोंड काळें तर केला. इतलें सांगून मोठो परधान आसा तो काय राजसभे फाटीं तर परतला.

चल्ला राजा नी सभेर रे,
चल्ला राजा नी सभेर मूं.

: असो काय राजा घरी गेला आनी राजाक म्हुणों लागलो की, राजा पयलीं आसा तेका नाल्लबंद आनी फाटलो आसा तो माणकावंत म्हण नांवरस तर येयल्या.

दोगां नांवरस बरी येयल्या रे
दोगां नांवरस बरी येयल्या मूं.

: आनी जातक पळोवूंक गेल्यार म्हण्टा की, भटान पळयतासून काय काळें तोंड तर केला.

इतल्यो खबरी भटान सांगल्या रे,
इतल्यो खबरी भटान सांगल्या मूं.

: अशें करतापासून काय चार दिसांकडेन न्हाण केलां आनी सात दिसांकडेन सटी काय केल्या आनी सटये दिसां काय आपूण गांवा लोकां काय मट्टण करतलो म्हण राजान मोठी काय भोंवडी तर सांगल्या.

मोठे भोंवडेक लोकां सांगला रे,
मोठे भोंवडेक लोकां सांगला मूं.

: अशें काय म्हण्टा की राजवाड्यार म्हण्टा की गांवोन गांव काय सांगोन काय सोडला. आनी मोठे तरेन काय बुदवारा दिशी तुमी सगळ्यांनी काय येवंचें, आनी त्या आडांबीच्या[१२] मळार तुमी सगळ्यांनी जमा तर जावंचें. असो काय लोक मोठो काय तेणी खाण पेटयो काय मोठे भुतयो काय बांदून आप-आपल्या घरच्यान भायर सरोन त्या राज्यांत तर गेला. आनी त्यो काय घेवून ते राजाले शिकारे म्हण्टा की भोंवडे काय तर सगळो लोक जमा तर जाला. आनी राजापासून म्हण्टा गेलो आनी सभा भल्या, काय मोठ्या त्या मळार काय बसल्या.

लोकां सभा नी बसला रे,
लोकां सभा नी बसला मूं.

: आनी पयलीं काय राजान आपलें राज्य आसा तें म्हण्टा की पवन राजाक विकलेलें.

---

१२ - आडांबीच्या = निवळ

मोठो पवन नी राजा रें,
मोठें पवन ते राज्य मूं.

: आनी इतल्यान म्हण्टा की त्यो दोनूय रगतासारख्यो किटी, ते दोनय कुंवर काय भायर तर सरल्या.

चल्ले घोड्यांच्या गोठलां रे
चल्ले घोड्यांच्या गोठलां मूं.

: अश्यो काय दोगांयनी दोन घोडयो काय काडल्यो आनी दोगूय काय सुंवार त्या घोडयांचेर तर जाला. आनी घोडयां काय चाबूक माल्ले आनी घोडयो काय मोठे पिटाळूंक लागले, त्यो मार्गा काय चलोंक तर लागल्या.

धुल्लासूर[13] मार्गा घोडयो वयता रे,
बयो धव्यो नी त्यो घोडयो मूं.

: अश्यो काय पिटाळीत काय वयता, मार्गा काय थंय त्या चंदणसुरा मळा काय गोपीचंदन रूक्षा मुळा काय पावल्या.

राजान ठावो कुंवरां केलारे,
राजान ठावो कुंवरां केला मूं.

: आरे देवा म्हण्टा की, पाड पोडो म्हण्टा की त्या भगवंतान आपल्या काय नशिबांत आसा म्हुणोन की हें फळ दिलेलें, आनी आता म्हण्टा की दोगय मृती आसल्यो कोण खंडा राज्यां तर चल्ल्या.

पाडा पोडो देवा जल्म रे,
पाडा पोडो देवा जल्म मूं.

---

१३ - धुल्लासूर = धुल्लान भरिल्लो

: अशे ना ना म्हण्टा वैंशा[14] पुत्र येयलेले, आता म्हण्टा की सटी - बारसो करनासतना ते काय गेले. आनी लोकांनो, गांव-भावांनो तुमी तुमगेल्या घरा वचात आनी आपूण आसा तो की काळ्या नी तोंडान दुकां पुशीत काय घरी तर चल्ला.

बरो इक्रामंत राजा रे,
बरो इक्रामंत राजा मूं.

: तो काय परतून येयलो आपल्या घरी येयलो, काय आपल्या बंधूक काय राज्यार बसोवन सुशेग काय तर आसा. आनी धळधळ्यां रडोन काय मोठ्यो दुकांच्यो नदी तर सुटल्या. आनी ह्या वटेन लोक गेलो सगळो आप-आपल्या राज्यांत काय आप-आपल्या घरी काय लोक तर वचून तर बसला.

दोनी मृती मार्गा चलता रे,
दोनी मृती मार्गा चलता मूं.

: अशेतरेन राज्यां सोडीत काय शिमो वलांडीत काय अशेतरेन घोडयो वचोंक तर लागल्या.

बयो चलोन चलला रे,
बयो पावोन पावला मूं.

: बयो काय वांटो काय मोठ्यो, घोडयो अपरूपाच्या पेडार काय मोठ्यो तर पावल्या. आनी चांद-सुर्य गेले अस्तबना[15], काळखा काय मोठे तर घातल्या. अशे खंयी वयतो म्हटल्यार काय वाट काय कळना, कोण मोठी भया - भिती तर जाल्या.

---

१४ - वैंशा = वंशा
१५ - अस्तबना = अस्तमना, अस्ताक

दोनी घोडयो नी थारयल्या रे,
दोनी घोडयो नी बांदिल्यो मूं.

कुंवर पिंपळा पेडार बसला रे,
कुवर पिंपळा पेडार बसला मूं.

: दोगूय काय पिंपळा पेडार काय बसले अशे काय मोठे बुद्धी काय करता. आरे दादो म्हुणों लागले की ह्या अरण्यांत मोठे काय आमी दोगूय काळखे रातीचे तर आसा. आनी गोठणी गेल्यार म्हुणों लागलो की काय काळखे रातीचो कोणाय येवन आमकां चाबून काय खातलो आनी मारून तर वडयतलो.

दोन पार नी वांटिता रे,
दोन पार नी वांटिता मूं.

: असो काय म्हुणों लागलो की सांजे पार तर तूं राख फाल्यावेलो पार काय आपूण तर राखता. नाल्लबंद कुंवरा म्हुणों लागलो की सांजेपार राख, आपूण तर फाल्या वेलो राखतलो. नाल्लबंद कुंवर आसा तो दादो म्हुणों लागलो की सांजे पार तूं तर राख.

बरो सांजेचो तो पार रे,
बरो माणकावंत राखता मूं.

: असो काय सांजेपारा कोण वर्तुमान तर जाला. बरे राती म्हण्टा की काळखे रातीचो तर तळ्यासान तर बेबो काय वयर तर सल्ला. आनी तें काय माणिक काय वोंकला आनी त्या माणका उजवाडांत पाताळां शीर्स[१६] काय चरपाचो. असो काय शीर्स त्या पिंपळापेडावेल्यान येयलो आनी त्या म्हण्टा माणका उजवाडांत काय शिर्सान लागलें आपलें पोटा भरवण तर करपाक.

---

१६ - शीर्स = नाग

कुंवरान बेब्याक मारिला रे,
कुंवरान बेब्याक मारिला मूं.

: असो काय बेब्या मारता आनी म्हण्टा की माणिक काय आपल्या पाताळखंडा राज्यां तर चल्ल्या. आनी मोठीं काय काळखा जालीं, मोठो काय उजवाड तर गेला. आनी तेका मारता काय तेचें मरण आसलेलें म्हण्टा की, पवन त्या राजाचें.

पवन राजा गुप्त जाला रे,
पवन राजा गुप्त जाला मूं.

: आनी ह्या वटेन म्हण्टा की तो आपलो पार जालेलो आनी तो नाल्लबंद कुंवराक काय मोठो उठोवपाक तर बसला. आनी इतल्यान म्हण्टा की शिर्स काय मोठो येयलो आनी म्हण्टा की चरोंक गेल्यार काळखे रातीचो काय तेका चरवणें तर मेळना.

तेका राग नी भरला रे,
तेका राग नी भरला मूं.

: असो काय दास्सु[१७] आसलेलो त्या पिंपळा पेडार वयर चडलेलो अशातरेन पाताळांतल्यान तर येयला. आता हेका म्हुणों लागलो की दंसून मारल्या शिवाय आपल्याक सूख तर ना.

शेखा बारा वर्सां जाल्यां रे,
शेखा बारा वर्सां जाल्यां मूं.

: आता हो म्हण्टा की ल्हान न्हू पळोवूंक गेल्यार बारा वर्सां बुसून म्हण्टा तो शेख काय नाग काय मोठो तो तर जाला आनी बारा वर्सांशी दायो धरतां तेका बडी मारल्यार वैंशाक सूख ना रे देवा.

---

१७ - दास्सु = नाग

बरो माणकावंत कुंवर रे,
निंद्रा बाळ नी रे जाला मूं.

: नाल्लबंद कुंवर आसा तो मोठो काय पाया बसलो आनी माणकावंत कुंवर काय तो असो काय मोठो न्हिदलो रे, मोठो सुख - समिंदरा न्हिद तर न्हिदला.

शेख वयर नी चडला रे,
शेख वयर नी चडला मूं.

: असो काय वयर तो ययलो नी दाखयत लिपयत गेलो आनी त्या माणकावंत कुंवराल्या दाया पांया किरांगळे दंश काय केला.

कुंवर रणाक पडला रे,
कुंवर रणाक पडला मूं.

: असो काय कुंवर रणाक पडटा नी कोण वर्तुमान तर जालां. या रे दादो म्हण्टा, उठ रे दादो म्हण्टा, दीस - फालें जालें म्हण्टा, काळखां जाली पयस म्हण्टा, चांद-सूर्य उगवले म्हण्टा, सातय खंडा मार्गा, तेणें बत्तीस काय किरणां तर सोडल्या.

बरो नाल्लबंद कुंवर रे,
बरो नाल्लबंद कुंवर मूं.

: यारे दादो म्हण्टा, दीस जालो म्हण्टा, आता काय फुडें मार्गा तर वचया.

कुंवर काय नी उठना रे,
कुंवर काय नी उठना मूं.

: ह्या वटेन त्या वटेन परतिल्यार कुंवर काय जाग-जूग करना, मेलेलें लाकूड कशें ते तरेन जालां. आनी नाल्लबंद कुंवराचो मोठो घात तर घडला आनी तें पित्र[१८] खांदार तर माल्ला.

कुंवर मार्गाक चलता रे,
कुंवर मार्गाक चलता मूं.

: आनी त्या वटेन म्हण्टा, त्या पवन राजाची बायल आसा ती म्हण्टा, त्या पवनराजाक म्हण्टा, घोड्यार मारून म्हण्टा, मार्गा चलोंक तर लागल्या.

तिवूं येता नी एकटेन रे,
तिवूं येता नी एकटेन मूं.

: आनी कुंवर काय फुडें वयता आनी ती काय ह्या वटेन वयता नी दोगांयली मार्गार भेट तर जाल्या.

तुवूं कोणाचो नी कोण रे,
तुवूं कोणाचो तो कोण मूं.

तूं वयता खंयी तेवूं घेवन रे,
खांदार मात्र कितें व्हरता मूं.

: आगे म्हुणो लागलो की आपलो बंधु म्हुणों लागलो की त्या पिंपळा पेडाकडेन न्हिदलेलेकडेन राती काय मोठो कोणी खायलो म्हण कळना, माल्लो म्हण काय खबर तर ना.

तेका घेवन मार्गार वयता गे,
तेका घेवन मार्गार वयता मू.

१८- पित्र = प्रेत, मडें

: आगे म्हुणों लागलो की तूं तें कसलें तें काय कितें घेवन तर खांदार घेवन काय वयता? आरे बाबा म्हुणों लागली की आपलो भरतार[19] म्हुणों लागलो की राती तर गुप्त तर ज्राला. तें प्रेत घेवन काय आपूण तर मार्गा तर वयता.

दोगू एकमेकां सांगता रे,
आपल्यो दोगांल्यो त्यो खबरी मूं.

: अशें काय त्या कन्ये काय राणये काय त्या कुंवरा अशी पळयल्यार दोळे काय काडपा जायना, दिस्ता म्हण्टा सुर्याच्या वर्णाचो, कपली काय चांद-सुर्य तर जळटा.

रगता सारकी तिवूं कीट रे,
काडल्यार जायना दोळो काडपा मूं.

: आरे म्हुणों लागली की हीं दोनय मडीं आमी घेवन भोंवल्यार म्हुणों लागली की तीं जिवदान काय जायना. आरे म्हुणों लागली की तीं, हांगा उडय आनी तूं आपल्या बराबर तर यो.

कुंवरा काय नी सांगला रे,
कुंवरा काय नी सांगला मूं.

: कुंवरा मना नी सारें रिगलें आनी तो आपले धये घोडयेर काय बसलो, दोगांय त्या पवन राज्यां तर चल्लीं.

कुंवर पवन गड चडटा रे,
कुंवर पवन गड चडटा मूं.

---

१९ - भरतार = भ्रतार, घोव

: असो काय पवन गडा गेलो आनी त्या पवन राजाची आसा ती म्हण्टा घुडी काय खाली तर देंवयल्या आनी आपलो बावटो काय वयर तर लायला.

आपल्या नांवान लायलो बावटो रे,
राजा कुंवरा नी केला मूं.

: आरे म्हुणोंक लागलो की बाप्पान अर्दें विकलेले राज्य म्हुणों लागलो की आता म्हुणों लागलो की आपणें अर्दर्या राजाक आपलें राजालें नांव काय तर घायलां. आनी आपल्या नांवाचो बावटो लायलो आनी मोठीं काय तीं दोगां, थिंगां तर आसा.

तोवूं भरतार करिला रे,
तेवूं कन्येन भरतार जोडिला मूं.

: आनी त्या पवन राज्या गडा भोंवतणी मोठीं काय मेंटां जोडलीं आनी बरे काय शिपाय तर दवल्ल्या.

बरे पवन गडा मार्गा रे,
शिपाय - पेदे नी दवरिला मूं.

: ह्या राज्यां म्हण्टा काय कोण धये घोडयेर बसून येयल्यार म्हण्टा धर आनी तासून काय तर मार. असा भाशणां आपल्या परधाना, शिपाय - पेद्यां तर सांगलां. आनी तितल्या कामा तेंची नोकरी काय मोठी तर वाडयल्या.

बरीं मेटांनी दवरिल्या रे,
बरीं मेटांनी दवरिल्या मूं.

बरो घाटावयलो धनमंत्री रे
बरो घाटावयलो धनमंत्री मूं.

: असो काय धनमंत्री[20] म्हण्टा आपलो काय गारूड्याचो भेस केलो आनी आपल्या काय मार्गा तर चलता. असो काय घुलां सट घेयला काय नागशेर[21] मोठो, काय खाक्यां घेयला नाग-सर्पा काय पेटारो, काय आपलें घाड - गारूडपण करीत काय मार्गा तर चलता.

गांव - गांव नी तो वेता रे,
गांव - गांव नी तो वेता मूं.

: अशें काय गारूडपण करीत काय आपल्या पोटाभर काय करूंक तर लागला. असो येता येता काय मार्गा दोनय पित्रां काय देखता नदरे तर भरल्या.

दोनय पित्रां नी पळयला रे,
दोनय पित्रां नी पळयला मूं.

: अशीं काय दोनय पित्रां तपासून पळयल्यार म्हण्टा की एक बेब्या मारून तर काय तर केल्या आनी बेब्या जिवदान दिल्यार म्हण्टा की तर पवनराजा जिवदान तर जाता आनी हो कुंवरा म्हण्टा की दास्सुन तर माल्ला, हेका म्हण्टा की आपूण जिवदान तर करतलो.

बरो बसला दोनी मार्गा रे,
बरो मार्गा नी बसला मू.

: आनी तेन्ना आपलो काय पेटारो खाली दवल्लो आनी मोठे तरेन म्हण्टा काय जादू-मंत्री काय करूंक तर लागला.

दिशी लागला नी बानोंक रे,
दिशी लागला नी बानोंक मूं.

---

२० - धनमंत्री = धनवंतरी
२१ - नागशेर = एक सुशीर वाद्य, पुंगी

: असो नागशेर काय नाकीन वाजोवंक तर लागला आनी तोंडांनी म्हण्टा मंत्र काय म्हणोंक तर लागला. आनी सवर्णाच्या ताटांत मोठो काय विडों काय पुजून तर दवल्ला.

नाग धोलत तो येता रे,
नाग धोलत तो येता मूं.

: आनी दंश केलो आसा तो, घांस माल्ले आसा तो नाग काय मोठो दाखयत लिपयत काय मोठो काय तर येता.

भायर भायर नी भोंवता रे,
भायर भायर नी भोंवता मूं.

काळो नाग नी तो जाता रे,
काळो नाग नी तो जाता मूं.

: असो गारूडी काय मंत्र काय बोलता जप काय जपता नाकांनी नागशेर वाजयता. अशातरेन मंत्रांनी तेंका काय हाडूंक मोठो तर लागला.

दपत लिपत नाग येता रे,
दपत लिपत नाग येता मूं.

: आनी असो दपत लिपत येवन म्हण्टा तो आपल्या फाडा काय लागलो मोठो विशें काय तर वोडपाक.

विशें लागलो नी वोडूंक रे,
विशें लागलो नी वोडूंक मूं.

: अशें सारे विशें आसा तें आपल्या आंगा तर वोडून तर घेतल्या आनी त्या गारूड्यान आपली बेतकांठी भोंवडायली आनी तो कुंवर आसा तो मोठो जिवंत काय जालो.

अश्यो खबरी रस्त्यार जाता रे
अश्यो खबरी रस्त्यार जाता मूं.

: आनी कितलेंय नागान दंसल्यार म्हण्टा की त्या पित्रा म्हुणों लागलो की हात लावोंक जायना, पूण म्हण्टा की मोठो गारूडी मेळ्यार त्या नागा हाडटा आनी तेका विशें तर वोडूंक तर लायता.

अशीं शात्र्यां नागा जाता रे,
अशीं शात्र्यां नागा जाता मूं.

: कशातरेन रडोंक शिरापूं जायना नी मोठें काय आपडूंक जायना आनी ते नंतर गारूडी म्हणचो हाडचो नी नाग-सर्प येता आनी चोर आसा तो मोठो काय येयना.

मंत्रान जायो नागा हाडूं रे,
मंत्रान जायो नागा हाडूं मूं.

: अशें काय नागान म्हण्टा सारें विशें वोडलें आनी नाग म्हण्टा तो गुप्तखंडा गेला आनी तो कुंवर आसा तो मोठो सुशेग काय जालो आनी तो कुंवर आसा तो उठलो आनी मोठो काय 'बाप्पा' म्हण शब्द काय बोलोंक तर लागलो.

बरो धन्य नी गारूड्याक रे,
बरो धन्य नी गारूड्याक मूं.

: आरे बाबा पुता म्हुणों लागलो की तुज्या मार्गान तूं काय चल म्हुणों लागलो, की तुका अशातरेन कितेंय जाल्यार म्हुणों लागलो की तुवें आपल्या घांट देशा राज्यां येवोंक तर जायें. आनी आपल्या दारां म्हुणों लागलो की एक कवाथो काय एक केळ तर आसा.

एका लेमांत दोनी वस्ती रे,
केळ कवाथो तो आसा मूं.

: इतलें करून सांगून तो गारूडी म्हुणों लागलो की त्या पवन राजा जिवदान करतलो जाल्यार त्या बेब्या करून त्या नंतर त्या म्हुणों लागलो राजा जिवदान तर करूं जायो.

हेवूं पाडा नडी पोडूं रे,
हेवूं पाडा नडी पोंडूं मूं.

: आनी इतलें करून तो गारूडी आसा तो फुडें मार्गा तर चलों तर लागला. आनी गांवोन गांव भोंवोन म्हण्टा तो तर आपली पोटाभरी रक्षण तर करता. आनी ह्या वटेन कुंवर आसा तो शाव - सुद तर जाला.

जिवदान नी तो जाला रे,
आपले घोडये नी सोडिला मूं.

: आपले घोडयेर बसून त्या म्हण्टा चाबूक माल्लें आनी ती म्हण्टा घोडी काय वयशी तर पवन राज्यां तर वयशी.

पवन गड नी तो चडती रे,
पवन गड नी तो चडती मूं.

: अशी काय घोडी पिटाळ्ळी ती वचोन काय फांत्याच्या पारा त्या

पवनगडाच्या मुळसांत काय वचोन काय- रावल्या. पवन गडाच्या मुळसांत पावल्यार म्हण्टा की शिपाय - पेदे आसा ते काय घोडये वयर चडों तर दिनात.

कुंवरा जबाब नी उलयता रे,
जबाब नस्ते नी उलयता मूं.

: आरे म्हण्टा आपूण त्या पवन राज्यां म्हण्टा वचों जायो, ते म्हण्टा त्या पवन राज्यां वयर वचों तर जायना. इतलें परमाणें भाशण जायनाका, ते घोडयेचे हात-पांये तर काय कापून तर सोडल्या.

बरे हात - पांये कापल्या रे,
घोडये लुंड करून सोडल्या मूं.

: आनी कुंवरा धल्लो आनी मोठो काय त्या आपले म्हण्टा राजाले वर्दे प्रमाण बारीक तासून काय त्या पवन राज्याल्या न्हंयचे तडेर रेयें[२२] तर पुल्ला.

बरे न्हंयेक पुल्ला रे,
बऱ्या समदिराचे तडी मूं.

: ह्या वटेन म्हण्टा की आपल्या राजान वर्द दिलेली तीं केल्लीं कामां बरेतरेन केल्या. आनी अशातरेन म्हण्टा तुमी कोणा तरी ह्या पवन राज्यांत सोडूं तर जायना.

अशी राजाली ती वर्द रे,
अशी राजाली ती वर्द मूं.

२२- रेयें = रेवेंत

: ह्या वटेन म्हण्टा की कोण वर्तुमान तर जालां आनी ते रातचो म्हण्टा की तो फाल्यावेलो परवूंक तर लागला.

माल्ले घाये नी दुखता रे,
माल्ले घाये नी दुखता मूं.

: अशातरेन म्हण्टा की कुंवरा मोठो जोर काय भल्लो आनी त्या रेंयां काय कुंवर काय मोठ्यो परवण्यो काडूंक तर लागला. आनी फाल्यावेळो भट आसा तो म्हण्टा की पाणट्यार उतकाडे वचों तर काय भायर तर सल्लो. आनी भटा म्हण्टा काळोख आसा न्ही म्हण्टा उतकाडें वचोन उदक - पाणी न्हावोन काय देवाल्या शिरइशे काय भटा तर वचों जायें.

चल्ला पाणट्यार तो भट रे,
चल्ला पाणट्यार तो भट मूं.

:असो काय पाणट्यार गेल्यार म्हण्टा की बारीकसाणेन म्हण्टा की रेंयां काय कोण परवण्यो तर काडूंक तर लागला.

आज कोण कामा जाता रे,
आज कोण कामा घडटा मूं.

:असो काय दपत-लिपत काय वचोंन काय ते रेंयां पळोवपा तर लागला. पळयल्यार म्हण्टा भितर मातयां म्हण्टा कोण काय परवण्यो तर काडटा.

दोनी हातांनी उस्तिला रे,
दोनी हातांनी उस्तिला मूं.

:असो काय उस्तिल्यार काय रेयेंत भोन्न आसलेल्या रणांतलो कुंवर काय वयर तर सल्ला.

कुंवरा वयर नी काडिला रे,
कुंवरा वयर नी काडिला मूं.

: असो काय ह्या भटा म्हण्टा भुरगें ना काय बाळ म्हण्टा, त्या भटाक काय भुरग्याची त्या बाळाची मोठी आवड तर आसता. तो गेलो आनी त्या न्हंयचेर म्हण्टा धुवून त्या आपल्या नदीर उदक-पाणी न्हावोवन त्या बाळशाक काय खांदार तर माल्ला.

बरो घेवन घरा येता रे,
बरो घेवन घरा येता मूं.

: असो काय कुंवर बोंब काय मारता आनी पोटा भुकेन कुंवर काय जाम जाला न्ही ह्या वटेन म्हण्टा की घाय माल्लेले जळों तर लागल्या. कितें जाता तें जाव म्हुणों लागलो आनी कुंवरा काय घेवन तर घरी वयता आनी भटीण काय त्या भटाचेर मोठी पिकार काय जावूं लागली.

मेल्ल्यान हाडलां कोणा बाळशें रे,
मेल्ल्यान हाडलां कोणा बाळशें मूं.

: अशीं बाळशीं म्हण्टा काय कोणा राणे काय कोणालीं पोटाचीं उडयलेलीं तीं काय आमच्या घरा तर हाडल्यां. आनी आमी म्हण्टा दोगां आसलेलीं सुखी आसलेलीं आता म्हण्टा हेची शिरइस करतली काय देवा शिरइस कोरोन काय आमगेलें पोट तर भरतली?

देवा घात नी तो केला रे,
देवा घात नी तो केला मूं.

: भटान काय उदक-पाणी न्हाणयलो आनी त्यानंतर आपल्या जाये ती च्या इल्ली पिलो आनी त्या बाळशा तर घायल्या.

देवा इश्वरा सुमरण[२३] जाला रे,
देवा इश्वरा सुमरण जाला मूं.

: आरे देवा इश्वरा - पार्वते सुमरण जाला आनी त्या नंतर त्या बाळशालें बोट काण्ण काय तोंडां तर घायल्या.

बाळशा दूद तें जाला रे,
बाळशा दूद तें जाला मूं.

: इश्वरा पार्वतेन म्हण्टा की तेच्या दाया हाता किरांगळे दूद काय तर सोडलां. आनी तें बोट तोंडां घायल्यार नंतर म्हण्टा तेच्या पोटाची राखण तर जाता.

अशीं कामां भट करता रे,
अशीं कामां भट करता मूं.

: इतलें काय भटान म्हण्टा की उदक-पाणी न्हाणोवंचें आनी बरो आपल्या भटीण दिता तें हाडून त्या बाळशाशें भरोवंचें आनी अर्द म्हण्टा आपूण खावंचें आनी वाड्यार गांवां - गांवांनी पावून म्हण्टा कोणाली गांवची शिरइस आखून पोट तर भरता.

भटीण ज्यास्ती[२४] नी भरता रे,
भटीण ज्यास्ती नी भरता मूं.

: मेल्ल्यान म्हण्टा कोणालें बाळशें हाडलें नी आपल्या काय त्रास करता अशें म्हण भटीण ज्यास्ती नी भरोंक लागल्या. आनी घायलेले कडेन कुंवर काय परवता मोठो काय तेच्यान तर सोंसूक तर जायना. आनी मोठो एक दीस काय कोण वर्तुमान काय भटाक कुंवर तर सांगता.

---

२३ - सुमरण = स्मरण, याद
२४ - ज्यास्ती = गाळी

म्हाज्या बाप्पा न्हू तूं बाप्पा रे,
म्हाज्या बाप्पा न्हू तूं बाप्पा मूं.

: आता म्हुणों लागलो की आपल्याच्या आंगाक जालां तें तुज्यान काय पेकोवंक तर जायना. आनी त्या घाटा देशा त्या धनमंत्र्या राज्यां मोठो काय वचोंक तर जायो.

तेज्या दारां आसा नी केळ रे,
केळ - कवाथो नी आसा मूं.

: तूं म्हुणों लागलो की इल्लें वखद काय हाडून तर आपल्या घायल्यार आपूण काय बरो तर जाता.

भटान मार्ग नी धरिला रे,
भटान मार्ग नी धरिला मूं.

: असो तर घाटा देशा गेलो तर केळ-कवाथो एका लेमां तर आसा. आनी त्या नंतर काय 'ओ घरा' म्हुणून काय उले तर माल्ल्या.

धनमंत्री भायर सल्ला रे,
धनमंत्री भायर सल्ला मूं.

: आरे बाबा म्हुणो लागलो की कित्या काय तूं आपल्या राज्यां तर पावला. आरे धनमंत्र्या म्हुणों लागलो की आपल्याक काय तुजें हें वखद जायें, आपल्याक काय एक नेण्टो भुरगो तर मेळ्ळा. तेका कोणी तासून काय वडयला, तेचे घाये काय पेंकना, तेका एकदम मातेरी तर जाल्या.

धनमंत्र्या खबर कळ्ळ्या रे,
धनमंत्र्या खबर कळ्ळ्या मूं.

: आता म्हुणों लागलो की, आपणें पयर जिवदान करून दिलेलो त्याच कुंवराक कोणें जाल्यार मारून वडयलो, त्याच कुंवरा आपणें तर सांगलेलें असो काय त्यानंतर आंगणा तर गेलो आपलीं काय वखदाचीं पानां तर काडल्यां.

घेयल्या धनमंत्र्यान हातां रे,
घेयल्या धनमंत्र्यान हातां मूं.

: अशीं तीं मुका अर्दान म्हण्टा काडलीं, भटाकडेन दिलीं आनी हीं म्हण्टा बरेतरेन धोडय नी त्या कुंवरा तर लाय.

मावो उरना कुंवरा घायो रे,
मावो उरना कुंवरा घायो मूं.

: असो काय बेगी-बेगीन घेयन येयलो, आपल्या राज्यां येयलो आनी उदक-पाणी कुंवरा तर न्हाणयल्या. आनी तेन्ना वखदाचीं पानां धोडयलीं आनी कुंवरा घाया मोठीं काय लायल्यां.

कुंवर बरो सुंदर जाला रे,
कुंवर बरो सुंदर जाला मूं.

: त्यानंतर म्हण्टा, कुंवर म्हण्टा की 'बाप्पो' म्हण्टा, त्या भटाबरोबर तर भोंवो तर सोदता. आरे बाबा पुता म्हण्टा, तूं काय ह्या घरीं तर राव. असो अर्द दोवलो कुंवरा घायलो, अर्द दोवलो काय आपूण खायलो, अशा तरेन तर करता.

भटीण भारी त्रास करता रें,
भटीण भारी त्रास करता मूं.

: असो काय भटा अन्न खाता तें म्हण्टा की जिवा काय लागना, अशातरेन काय भटीण मोठी काय चिंता तेका तर करता.

मेल्ल्यान कोणा भुरगें हाडला रे,
आमकां त्रास नी करूंक मूं.

: असो काय म्हण्टा की मोठो जीव आसलो सुखा काय मोठो दुखां तर घायला. अशातरेन भटा अन्न ना उदक, एक दोवली घायली ती म्हण्टा दोगू वांटून तर खाता.

कुंवरा जायना त्रास काडूं रे,
ज्यास्ती माल्ल्यो आयकूं जायना मूं.

शिवूं म्हळळें घेवूं जायना रे,
ह्यावूं तरेन तोवूं कुंवर मूं.

: असो उठलो आनी मोठो दोन धेंपो आडसा तर गेलो आपल्या काय बोमल्यांतलें एक रत्न काय मोठें तर काडलें. आरे बाप्पा, म्हुणों लागलो की ह्या बोमल्यांतलें रत्न तर व्हर आणि कितें जाल्यार हाडून कणी - तूस तर खावया!

बरें रत्न नी तें दिलां रे,
बरें रत्न नी तें दिलां मूं.

: बरें तें रत्न माणिक व्हरून त्या भटान आसा तें व्हरून भटणी काय सुवादीन तर केल्या. हें व्हर, बजारा इक आनी कितें मेळटा तें तेचें तूस तर हाडून तर खावया.

भटीण घेवन नी तें गेलां रे,
भटीण घेवन नी तें गेलां मूं.

: अशी काय भटीण बाजारा व्हरपाची, त्या नाल्लबंद कुंवराल्या, मोठ्या पवन राज्यां तर चल्ली. आनी त्या भटाले म्हण्टा त्या भटणिलो आनी त्या राजालो मोठो मोग तर आसा.

व्हरोन माणिक तेका दिलां रे,
व्हरोन माणिक तेका दिलां मूं.

: त्या माणकाचें काय कोणाच्यान मोल करूंक जायना, तर तें सारकें म्हण्टा भांगराचो गुळो म्हण्टा तें अर्द पिरथी बुसून मोल तर जायना.

मोल जायना तेचें करूं रे,
तेचें गिराक नी करूंक मूं.

: अशातरेन म्हण्टा त्या राजान म्हण्टा, त्या भटणीक काय गाडीभर तांदूळ आनी मोठे काय एक पांचशीं - सयशीं रूपये काय दिल्या.

बरी खुशाल ती येयल्या रे,
बरी खुशाल ती येयल्या मूं.

: अशी आठ-पंदरा दीस बरेतरेन त्या कुंवरा तर घालता, त्या भटा काय सुशेग तर घालता. अशे करता बुसून पंदरा दीस बुसून सुशेग तर घायले.

परत्यो ज्यास्ती बोलूं लागल्या रे,
परत्यो ज्यास्ती बोलूं लागल्या मूं.

: हाड हाडलेलें म्हण्टा पावना, पयर म्हण्टा हाडलेले गाडीभर तांदूळ, एक तर म्हण्टा इतके दुडू हाडलेले, खावोन तर काबार. आनी हेणें म्हण्टा, भटान म्हण्टा नासलेली म्हण्टा घराकडेन नड हाडून तर घायल्या.

बरो रिणकार पदरी घांतला रे,
बरो रिणकार पदरी घातला मूं.

: अशातरेन म्हण्टा, पाडा पोडों म्हण्टा ह्यो नडी म्हणाल्यो, परतो कुंवर काय धळधळ्यां रडत म्हण्टा की आपलें परतें मार्णीक तर काडलें. आनी हें बाप्पा म्हुणों लागलो की व्हर, कोणागेर म्हण्टा तें दवरीं नी कितें मेळटा तें तेचें हाड आनी मोठे तरेन आमी तर खावया.

आपल्या पसत तुका ज्यास्ती रे,
आपल्या पसत तुका ज्यास्ती मूं.

: आपल्या पसत म्हुणों लागलो की तुयेन म्हुणों लागलो की रीण काय काडलें, हें काय घे आनी तुजे बायलेकडेन बरें काय दिया.

आपल्याच्यान नी जायना आयकोंक रे,
आपल्याच्यान आयकोंक नीं जायना मूं.

: अशें काय तें परतें हाडलें आनी ते भटणीकडेन भटान काय दिलें आनी ती भटीण तें घेवून काय पवन राज्यां तर येयल्या.

तेवूं तेवूं नी घेयिल्या रे,
तेवूं तेवूं नी घेयिल्या मूं.

: परते तें काय मोठें हाडून काय तेका तर दिल्या. असो काय एक अर्द पयसो तर दिला आनी तांदूळ, नाल्ल - गोड अशातरेन म्हण्टा सगळें सामान तर दिल्या.

बरे सुशोग नी आसा रे,
बरे सुशोग नी आसा मूं.

: अशें आठ-पंदरा दीस म्हण्टा, बरे सुशेग नी खायले म्हण्टा, नी कोण वर्तुमान काय पवन राजान तर केला.

बरें वाऱ्या वचपा नी केलां रे,
बरो माया म्हयन्याचो नी येळ मूं.

: बरें काय चंदण मारून तारवां घडूंक काय थेवये - मेस्त तर लागल्या.

बरीं चंदणाचीं तारवां रे,
बरीं चंदणाचीं तारवां मूं.

: असो काय बऱ्या येळार म्हण्टा तारूं घडून म्हण्टा, सारीं सामान तर तारवां भरूंक तर लागला.

तांदूळ - गोटो तारवां भल्ला रे,
लाकूड - बडी नी भरिला मूं.

: अशें काय सारीं सामान म्हण्टा, पयसो - आटको, उदक - पाणी की सगळें काय तारवार, सामान - मेथो तर भल्ला.

तारवां शिडां नी ताणिला रे,
तारवां शिडां नी ताणिला मूं.

: अशें काय तारूं आसा तें समुद्रां हाडून धुकलून काय दिल्यार समुद्रांत तारूं काय चलना.

बरें तारूं नी चलना रे,
बरें तारूं नी चलना मूं.

: हें म्हण्टा तारूं काय चलना, काय मोठे पान - विडे त्या देंवचारा तर दवरूं काय लागल्या.

कसो तारवा वारो लागना रे,
कसो तारवा वारो लागना मूं.

: असो काय तारवा वारो लागना आसतना, कासवाची दर दिली, कासवा दर दिल्यार काय तारूं तर वचना. अशें काय कोंब्याची दर दिल्यार, कोंबो कातरल्यार बुसून तर वचना, बोकड्याची दर दिवन तर पळेली.

तारूं जायी मनशा दर रे,
तारूं मागता मनशा दर मूं.

: आरे देवा म्हण्टा, त्या राजान शिपाय - पेदो धाडलो, गांवान म्हण्टा भोंवूं धाडल्यार दरे म्हुटल्यार मनीस जाण्टो - म्हातारो तर बुसून दिना. दरे दिवपाचो आसा तो घरा मेल्यार म्हण्टा तेची शिरइस बुसून करतले म्हणपाचो लोक तर आसा.

कोणा काय नी मेळना रे,
खंयचो मनीस नी मेळना मूं.

: सगळें राज्य भोंवल्यार शिपायां - पेद्यां म्हण्टा, मनीस सोदल्यार म्हण्टा, शी! म्हण लोक तेंकां पळोवन तोणे[२५] घेवन धांवडावन तर धाडटा. आनी जेदूस म्हण्टा भटीण त्या राजागेर गेली, राजा म्हण्टा की मोठो बाबडो जावन तर बसला. आनी रिणा गेल्यार मोठो राजा आसा तो जाप दिवंक तर करना.

म्हाज्या राजा न्हू तूं धनया रे,
म्हाज्या राजा न्हू तूं धनया मूं.

---

२५ - तोणे = तोंडे, दांडे

: आरे म्हुणों लागली, राजा म्हुणों लागली, की तूं सदां म्हण्टा इतलो हुशार आसता, आज म्हण्टा तूं काळें जावन काय तोंड कित्या तर बसला. कितें सांगो म्हुणों लागलो की आपूण म्हुणों लागलो, वाऱ्या वचपाचो तर उल्लो, तारूं मागता तर मनशाची दर तर मागता.

जरा नाका तुंवूं भिवूं रे,
जरा नाका तुंवूं भिवूं मूं.

मनीस दिवूं आपल्याचेर पावला रे,
मनीस दिवूं आपल्याचेर पावला मूं.

: भटान काय म्हण्टा कोणालो एक पुत्र तर हाडलेलो तो काय तुका तारवा तर दिता आनी तो काय आपल्यागेर जालो नासलेलो म्हण्टा, तो काय कोणालो मेळलेलो तो काय कुंवर तारवा तर दिवंचो.

राजा खुशाल खुशाल जाला रे,
राजा खुशाल खुशाल जाला मूं.

: अशी काय भटीण आसा ती घरी काय धांवली ती कुंवरा काय घेवन तर येयल्या. आनी तो भट आसा तो देवा शिरइशे काय वाड्यार तर गेला.

हाडून दिला राजा मोठो रे,
हाडून दिला राजा मोठो मूं.

: असो काय राजान आसा तो म्हण्टा, दरे दिवूं म्हण्टा, मोठो काय शिपायां - सरदारां व्हरून तारवार दवर म्हण तर सांगलां. आनी राजा नी म्हण्टा ती काय भटीण मौज - मस्कयो मारून भटीण आसा ती

आपल्या घरा काय गेल्या आनी राजा आसा तो मोठो आपले कपडे काय घालून तारवार चलून तर पावला.

कुंवरा दरे दिवपा केला रे,
कुंवरा दरे दिवपा केला मूं.

:अशें आपलें खड्ग काडला नी कुंवराची गोमटी काय मोठी तर धल्ला. कुंवरान म्हणलें आपले गोमटे घाय तर करूं नाका, आपल्या काय रणां मारूं तर नाका.

आपूण तारूं दरयां सोडटा रे,
हेवूं बांदलें सूम सोडा मूं.

: असो काय आपल्या दाया हाती किरांगळे बोटा काय घावो केलो आनी मोठो समुद्रां तर सोडला.

येव्द[२६] कुंवरा समुद्रां पडला रे,
येव्द कुंवरा समुद्रा पडला मूं.

: तेन्ना समुद्रां रक्त पडटा आनी मोठो काय तारवा वारो काय लागलो समुद्रा तारूं काय चल्ला.

बरें समुद्राक चलता रे,
तारूं समुद्राक चलता मूं.

: अशे काय मोठे एक दोन तीन म्हयने पासून समुद्रां भायल्या राज्यां तारूं काय चलूं तर लागल्या. आनी त्या राज्यां काय कोण वर्तुमान तर जालां, एक काय राजकन्या तर मोठी आसा.

---

२६ - येद्व = रगत

बरो कन्येलो नवूस[२७] चल्ला रे,
बरो कन्येलो नवूस चल्ला मूं.

: आपलो सारको म्हण्टा, भरतार मना म्हण्टा, की पळय मेळटा तेदूस म्हण्टा आपूण माळा तर घालतलें. अशातरेन म्हण्टा नवूस चल्ला आनी म्हण्टा माणीक - मोतयांची, केंप - वज्रांची माळा तर गातूंक तर बसल्या.

कुंवर दीपराग गायता रे,
कुंवर दीपयाग गायता मूं.

: असो काय राजकुंया धुकटा वयर रावन कुंवर काय तारवार पावला दिपराग - याग गायता, दिपरत्नां पेटोवूंक तर लागला.

दिपरत्नां नी पेटयता रे,
दिपरत्नां नी पेटयता मूं.

: असो दिपराग गायता, दिपरत्नां पेटयता, दिपरत्नां वाडोवंक मोठो तर लागला.

बरें गायन सुंदर रे,
बरें गायन सुंदर मूं.

:असो काय बारावरांवयले रात्री काय तो दिपराग गावपाचो, ते मोठे कन्येच्या कानीं तर पडल्या. आनी कन्या म्हण्टा, तो मोठो काय भरतार तर दिल्या, सटयेन काय अक्षर तर माल्ल्या.

बरें कन्या नी आयकता रे,
दिपयाग नी आयकता मूं.

---

२७ - नवूस = नवस, आंगवण

: आनी दिपरत्लां पेटयता तीं, वाडयता तीं सगळीं काय समुद्रां तर पळोवंक तर लागल्या. आनी तेन्ना म्हुणों लागली की, ये बाप्पा म्हुणों लागली की, आता म्हुणों लागली संयवराची आपल्या जावंद्या की ताकीद.

बरे गांवोन गांव सांग रे,
बरे गांवोन गांव सांग मूं.

: अशें काय गांवोन गांव सांग लोकांक, त्या सगळ्यां पुत्रा सांग, आपल्या काय मोठ्या संयवराचो लोक काय येवंचो. आनी दिपराग गायता तेचेकडेन आपूण मोठें काय लग्न तर जाता म्हुणोन काय मोठीं पत्रां तर शापल्यां. आनी नाजाल्यार म्हण्टा आपूण लग्न तर जायना, ह्या तरेन म्हण्टा, सगळी सभा तर भल्ल्या आनी सगळो लोक काय मोठ्या गाडयांनी, टॅक्सींनी आनी जिपिंनी काय मोठो तर भल्ला.

भल्ली राजा नी घरी सभा रे,
भल्ली राजा नी घरी सभा मूं.

: आनी तो राजा नाल्लबंद कुंवर म्हण्टा पासून त्या सभे काय वचून तर बसला. आनी हो कुंवर आसा तो, माणकावंत कुंवर आसा तो काडोन काय मोठो गुप्तन तर जाला आनी केळी पिंडांत काय वचून मोठो उबो तर आसा.

बरी सभा थंयची आसा रे,
बरी सभा थंयची आसा मूं.

: आरे बाप्पा म्हुणों लागलो की, आता म्हुणों लागलो की अशातरेन हांव गायता, तूं गायता म्हणलें म्हुणोन की आपूण काय कोणाकडेन तर माळा तर घेवंचिना. आनी ते दिपराग गायता ते आपणे काय पळयलें

ना. आनी जो काय दिपराग गायता, तेचे गळ्यांत आपूण काय माळा तर घालतली.

अशें आपलें नी तें लग्न रे,
बाप्पा सांगता नी ती धूव मूं.

: असो काय हती काडला आनी मोठो काय त्या सभे काय सोडला आनी हतयाच्या सोंडार काय ती माणिक - मोतयांची माळ काय दवल्ल्या.

हती फेरे नी मारिता रे,
माटवा फेरे नी मारिता मूं.

: इकडेन तिकडेन फेरे माटवा मारला आनी म्हण्टा की ते दिपराग गायता तेका घालूंक काय जाये म्हण कन्येन तर सांगलां. असो काय माटवा भायर गेला आनी त्या केळीं-पिंडां पोरा ती माळ काय घालून तर येयला.

बरो केळीच्या त्या पिंडा रे,
हती फाटीं नी परतला मूं.

: आरे बाप्पा म्हुणों लागली की, पळय म्हुणों लागली की आपल्या काय नशीबांत म्हुणों लागली की त्या केळीं पिडांत कोणालो पोर आसा तो काय नशीबांत तर मेळ्ळा. आनी हे फटीश सारके, काय एंप्रेगाद सारके काय कदेलां - खुर्च्यां म्हण्टा व्हलतेरांत बसोन तर आसा.

तुजो हती मदन मस्तो रे,
तुजो हत्ती मदन मस्तो मूं.

: आनी इतले म्हण्टा की मोठेतरेन बसल्या, आनी ह्या तरेन म्हण्टा अपघात करून त्या पोरान केळीं पिंडांत माळ तर घायल्या.

परती माळ घालूंक जायी रे,
हेवूं तुज्या राज्यां घडता मूं.

: तो म्हुणों लागलो की हती मदन-मस्तो जाला, आनी आमी इतले बसलेले आसतना, मोठ-मोठे आसलेले तेचेकडेन माळ घालची न्ही कोन्न त्या केळींपिडां माळ तर घातल्या.

दुसरो हती नी काडिला रे,
दुसरो हती नी काडिला मूं.

: परती कन्येन काय त्या हतया सोंडार माळ तर धल्ली, हती काय माटवा येवंचे कडेन तीन फेरी तर माल्ल्या.

केळी पिंडा सोदी चल्लारे,
कुंवरा माळ नी घातिला मूं.

: पळय म्हुणों लागली, बाप्पा म्हुणों लागली, तुमी म्हण्टा इतके एंप्रेगाद आसतना कोणा घालनासतना त्या केळीं पिडां तर माळ घायल्या. तुजो हती होवूं म्हण्टा काय मस्तो, परती म्हण्टा काय माळ घालूंक तर जायी.

परती माळ दुसऱ्या हतया घायल्यारे,
हतया सोडांक ती घायल्या मूं.

: हती ह्या वटेन त्या वटेन वयता आनी दाये - उजये पांच फेरे मारता नी वचून तर काय त्या केळीं पिंडा माळा तर घायल्या. अशातरेन म्हण्टा, तुजे सगळे हती मदांत काय फटींग तर जाल्या.

हती पिशे तुजे जाल्या रे,
हती पिशे तुजे जाल्या मूं.

: नेण्ट्या हतया पोर म्हुणों लागले की बारीक हाड आनी त्या हतया पोरान घालता तेचेकडेन जायन म्हण तेमी सगळ्यां उतर तर दिल्या.

हाडा नेण्टें हती पोर रे,
तेचे सोंडार धर ती माळा मूं.

: नेण्ट्या हतयान म्हण्टा एकेकडेन भोंवरो केलो आनी वचून काय माळ त्या केळी पिंडां घायल्या.

पांच खेपो कुंवरा माळ रे,
पांच खेपो कुंवरा माळ मूं.

: पळय म्हुणों लागले की, एक अशे आमी म्हुणों लागले की, इतले म्हण्टा मोठ-मोठे आसतना फुकट तर जाल्या. आनी तूं काय म्हुणों लागले की त्या तारवार दिलेल्या, दरे दिलेल्या बराबर तर वचों तर पडलें.

बरे लागले भाशण करपा रे,
कन्ये इकळाप ते घालता मूं.

: कन्या म्हुणों लागली की, आरे बाप्पा म्हुणों लागली की, कसलो सटर-फटर जावूं नी जाल्यार म्हण्टा की कपल-फुटको जावूं नी, ना तर बडको जावूं, आपल्या कपलां म्हुणों लागलो की तो तर पडला. आनी तुमी म्हण्टा की इतले सुंदर आसोन म्हण्टा की आपल्या तर कपलां तर पडपार ना.

तेचे पासून बाप्पा तुवूं रे,
चिंता करूंक ती नाका मूं.

: आरे बाप्पा म्हुणों लागलें की सड्यार रोयलेलें पिकना आनी कपलांत

आसलेलें चुकना, तो कोणा कोण, म्हार जावं ना जाल्यार चामार, आपल्या नाशिबांत तर पडला.

इतलें कन्या बाप्पा सांगता रे,
इतलें कन्या बाप्पा सांगता मूं.

: आनी ते इतले पंडीत येयलेले म्हण्टा, की मोठो राग काय तेकां तर जालो आनी तो नाल्लबंद कुंवर म्हण्टा की ह्या पोरा मारून ती कन्या आसा ती आपूण तर व्हरतलो.

इतलें मनांत येवजिलां रे,
इतलें मनांत येवजिलां मूं.

: आनी तो राजा आसलो तो आपल्या तारवांत बसलो आनी कुंवर आसा तो तेका उदक-पाणी काय न्हाणयल्या. आनी जेवणां-खाणां केलीं नी आता म्हुणों लागलो की आपल्या तर वचों तर जायें.

तारवार वचोंक तें जायें रे,
तारवार वचोंक तें जायें मूं.

: आरे स्वामी पती भरतारा, वयता जाल्यार म्हुणों लागली की, ही म्हण हांव तुका मोठी खबरी तर सांगता. अशीं काय खिणां कणकणटा, थेवये मेस्त हाडले आनी की मोठी पेट घडून तर घेयल्या.

साडे तीन हात लांब रे,
साडे तीन हात लांब मूं.

: अशी काय साडेतीन हात नेवी पेट काय थेवयांनी घडून तर दिल्या.

चायी - कुलपां पेटे लायला रे,
चायी - कुलपां पेटे लायला मूं.

: ती कन्या आसा ती जेवून - खावून म्हण्टा, पेटे गेली आनी दार काय कुलप तर कुंवरान केल्या. चायी केली आनी ती पेट माथ्थार हाडली आनी ती तारवार त्या कुंयां तर वडयली.

तारूं फाटीं नी चलता रे,
तारूं फाटीं नी चलता मूं.

: अशें काय तारूं फाटीं वयता नी अर्द समुद्रांत मदीं तर पावता आनी कुंवरा काय भायल्यान तर जालां. आनी कुंवर काय गेलो आनी तारवांचे तडेर भायल्यान काय बसलो आनी त्या राजान धल्ला आनी त्या कुंवरा काय फांपार तर माल्ला.

सप्त्या सागरा नी उडयला रे,
माणकावंत नी कुंवराक मू.

: असो काय सप्त्या सागरांत धप्प करून पडलो तो कन्येच्या कानांत तर पडला.

पेटे फांपार नी मारला रे,
पेटे फळें समुद्रां नी सोडलां मूं.

: असो काय पेटे फांपार माल्लो आनी पेटे धांपणें - फळें निखळ्ळां काय समुद्रांत तर सोडल्या.

कुंवरा फळें नी मेळला रे,
कुंवरा फळें नी मेळला मूं.

: त्या फळ्या पोट घायलें नी कुंवर म्हण्टा, समुद्र तर पोवों तर लागला. आनी ह्या वटेन म्हण्टा तो राजा आसलो तो आपलें तारूं घरीं काय मोठें तर घेवून तर येयला.

धक्क्या बंदर तें केलां रे,
धक्क्या बंदर तें केलां मूं.

: असो काय आपल्या पवन राज्यां काय मोठो तर चलून गेला आनी असो काय कन्ये तर घेवून तर गेला.

कन्ये घेवन घरी वयता रे,
कन्ये घेवन घरी वयता मूं.

: असो काय त्या कन्ये म्हण्टा की माळा घाल्या आनी आपली वस्तुरी[२८] काय जावया म्हण काय त्या कन्ये तर सांगो लागल्या. आनी कन्येन त्या नंतर जबाब दिला कीं बारा तीं चोईस वर्सां सोंपल्यार म्हण्टा तुज्या सुवादीन म्हण्टा पडटलें.

बारा वर्सां ती दी नी भास रे,
आपल्या हात - बोट लावूं जायना मूं.

: आपल्या हात - बोट लायल्यार काय राज्याचें भस्म काय करतलें, तुज्या जिवाचें नास काय करतलें.

इतकें दपकावणें कन्येन दिलां रे,
इतकें दपकावणें कन्येन दिलां मूं.

२८- वस्तुरी = अस्तुरी, बायल

: असो काय त्यानंतर कुंवरान म्हण्टा त्या राजान काय मोठो बंगलो काय खेरीत काय बांदून तर दवल्ला.

बरो भायर नी तो बंगलो रे,
कन्ये दिला नी बांदून मूं.

: असो काय तेचे शिरइसे काय दासी दवल्ला आनी आपूण काय दीस काय बरोवन काय दवरता, म्हयने काय लायता. आपलो दीस काय म्हण्टा चुकों जायना, म्हयनो काय फसो जायना, आनी वर्स काय चुकों तर जायना.

अशातरेन करता राजा रे,
आपल्या राज नी घरीं मूं.

: ह्या वटेन म्हण्टा तो फळ्या कुडक्यार पोट घालीत, पोट घालीत, पोंवत, पोंवत, तेचे हात-पांयें काय काड्डुकांनी खावन काय मोठे तर गेल्यांत.

आसा तोंडा कुंवरा दिवो रे,
काळजा तितलो नी तो कुडको मूं.

: असो काय पोंवत पोंवत म्हण्टा तडीर काय मोठो, तडीर काय हे बंदरा तर लागला. आनी थिंगा काय मोठे आसा काय मळे, ते काय शिंपों तर लागल्या.

बरे फुलांचे ते मळे रे,
बरे शिंपता मायावयले मूं.

: असो काय एक दीस फुलकार म्हण्टा, काळोख आसा नी कोळसो घेवन

मोठो नदीर तर गेला. असो काय घागर बुड्यच्या येळी काय कुंवर कोंणालो तेका काय दिश्टी - दोळ्यांकडेन तर पडला.

कुंवरा वयर नी काडिला रे,
कुंवरा वयर नी काडिला मूं.

: असो काय कुंवरा वयर काडलो आनी मोठो पळयल्यार म्हण्टा, सुर्याच्या वर्णाचो, उदका इतको नितळ, पानां इतको पातळ, कंपलीं चांद - सुर्य काय नियाळटा.

बोमलें रत्नां कुंवरा जळटा रे,
बरो सुर्या वर्णाचो मूं.

: आनी त्या मळेकारा म्हण्टा की भुरगें ना बाळ, म्हण्टा पुत्र काय फळ ना म्हण्टा, कन्या ना काय रत्न म्हण्टा, आनी तेणें म्हण्टा घागर थंय काय उडयली आनी कुंवरा काय मोठो घेवन काय घरी तर येयला.

म्हाजे प्राणसखे वस्तुरे गे,
कोणा भुरगो नी मेळला मूं.

: घोवा आनी बायले, भुरग्याची मोठी काय वोड काय आसली, कुंवरा काय फाटी - फाट घेवूं तर लागली.

बरी भुरग्याची नी वोडिची रे,
तेची बायल मळेकाराची मूं.

: आनी तो बायलेडे दिला कुंवरा आनी वचून मळे काय आपले फुलांचे शिंपून घरी तर येयला. आनी ह्या वटेन तेका काय मोठी काय ती वखद - पाणी घेवून काय घालता.

कुंवरा जतन तिवूं करता रे,
बरी प्रकारे ती करता मूं.

: ती काय कुंवरा काय कमी करना, घडीभर म्हण्टा तो कुंवरा घेयल्यार, घडीभर म्हण्टा बायल कुंवरा तर घेता.

बरी खेळी करपा पाठलयता रे,
बरी खेळी करपा पाठलयता मूं.

बरें वखद-पाणी तें दिता रे,
तेचे आई नी ते बाप्पा मूं.

: आरे बाप्पा म्हुणों लागलो की तुमच्यांनी तर आपले हात - पांये कांय बरे करूंक जायना.

आपूण फुडें तुमकां नी सांगता रे,
फुडलो मार्ग नी सांगता मूं.

: आरे बाप्पा म्हुणों लागलो की त्या घाटदेशा काय वचों तर जायो, त्या धनमंत्र्यागेर काय वचों तर जायो.

तोवूं धनमंत्री आसा रे,
त्यावूं घाटा देशाक मूं.

: अशें काय तेच्या म्हण्टा नी, दारां म्हण्टा नी, केळ- कवाथो म्हण्टा नी एका लेमांत तर आसा.

तेचें वखद हाड्रूंक रे,
तेचें वखद हाड्रूंक मूं.

: आरे स्वामी पती भरतारा, म्हुणों लागलो की, तेचे घरी वच आनी वखद तर घेवन यो. आनी तो काय वचून तर एक-दोन दीस मोडून तर वखद घेवन तर येयला.

बरें घेवन नी तो येयला रे,
बरें घेवन नी तो येयला मूं.

: अशें काय हाडून म्हण्टा कुंवरा हात-पांयां लायला, नंतर म्हण्टा कुंवरा हात-पांये आसा ते सारके तर जाल्या.

बरीं सुशेग नी आसा रे,
बरीं सुशेग नी आसा मूं.

: असो काय बरें जेयता - खाता, कुंवरा काय बसों दिना नी, तेंकां मोठ्या तरेन काय भुरग्याची उमेद तर जाल्या. आनी देवान परमार्थान म्हण्टा आमकां भुरगें नासलेलें म्हण्टा, भुरगें तर मेळ्ळें.

बरीं आनंदान आसा रे,
बरीं आनंदान आसा मूं.

: आनी तेच्या शब्दान काय तेचे पयलीं काय फुलांचे पयशे काय जालेले, ते तेंचें काय तेंका मेळ्ळे आनी नंतर म्हण्टा तेचें फुलांच्या बाजारा व्हयलेलें एक फूल काय परतना.

तेंका गिराक[२९] तें जाता रे,
तेका गिराक तें जाता मूं.

: असो काय पयलीं आसा तें म्हण्टा की कन्ये दिता आनी मागीर आसा तें सगळ्या राज्यां वांटो काय विकों तर लागला.

अशीं तेची तिवूं फुलां रे,
अशीं इकोंक पावता मूं.

: अशें करतापासून आनी एक चार - पांच वर्सां तर भल्लीं आनी कुंवर म्हण्टा बुद्धीचो जालो आनी नंतर म्हण्टा आपूण म्हण्टा, बाप्पा बरोबर तर वयता.

बाप्पा बरोबर वयता रे,
फुलां घेवन नी गे तोवूं मूं.

: आई गे, आपूण आई आज वचना जाल्यार फाल्यां कशातरेन म्हण्टा बाप्पा नासतना कोणा पयलीं, कोणा मागीर तोवूं दितलो.

आपल्या पळोवूंक जायें रे,
आपल्या पळोवूंक जायें मूं.

: पयलीं म्हुणों लागलो की, कोणा दिता तीं पयलीं दिवों जायीं, मागीर दितल्यांक मागीर इकोंक तर जायीं. अशातरेन म्हुणों लागलो की गिराक पळोवंक एक दीस म्हण्टा बाप्पा नासतना आपल्याक वचों तर जायें.

---

२९ - गिराक = गिरायक

फाटल्यान लागलो कुंवर वचपा रे,
फाटल्यान लागलो कुंवर वचपा मूं.

: अशातरेन काय वयता आनी म्हण्टा तिका ते कन्ये पयलीं, मागीर म्हण्टा राजाक आनी त्यानंतर सारी राज्यांत फुलां काय इकों तर लागला.

अशीं गिराक तेमीं केला रे,
अशीं गिराक तेमीं केला मूं.

: अशें काय दुसऱ्या दिसा कोण वर्तुमान काय कुंवरान काय केलां. एक चिमटी फुलां तर घेयल्यां.

बरो गातोंक लागला रे,
फुलां गातोंक कुंवर लागला मूं.

: आरे बाबा पुता म्हण्टा, तूं हीं चिमटीभर फुलां व्हरोन म्हण्टा पाड करतलो, एक म्हण्टा सर जाल्यार म्हण्टा एक आठ आणे आमकां तर मेळटले.

म्हाजे आई न्हू तूं आई गे,
म्हाजे आई न्हू तूं आई मू.

: तूं म्हुणों लागलो की एक चिमटीभर फुलां घेयल्यार, आपूण काय एक त्या फुलांचो गुंतून काय सर काय करून तर दितलो. अशें म्हणलो आनी तीं फुलां काय मोठो गांतूंक लागलो. वावळी ना सूत नासतना देठार तर गातोन तर सोडलां.

एक पत्रिका बरयला रे,
एक पत्रिका बरयला मूं.

: अशें काय आपलें नांव घायलें आनी ती काय पत्रिका काडली आनी त्या फुलांच्या झेल्यांत तर घायली आनी मोठो काय चेंडू करून त्या फुलांच्या डब्यांत तर करणांत तर उडयला.

बरो फुलां इकोंक चल्ला रे,
बरो फुलां इकोंक चल्ला मूं.

: असो काय तेचो बाप्पा आसा तो फुलां करण काय घेतलो आनी मोठो काय गेला. आनी व्हरोन काय ते राणयेच्या बंगल्याडे, त्या राणयेन काय फुलांचो तो चेंडू तर काडलो.

फुलकारा इचार घडिला रे,
फुलकारा इचार घडिला मूं.

: आरे फुलकारा मामा म्हुणों लागलो की, हो कोण काय फुलांचो चेंडू काय कोणी तर केला. आरे तेका म्हण्टा वावळी ना सूत ना म्हण्टा तेका माग मेळना म्हण्टा, तेका देठांत देठ भरून फुलांचो सर तर केला.

तेचें मोल करूंक जायना रे,
तेचें मोल करूंक जायना मूं

: आयक गे म्हुणों लागलो की, हो चेंडू म्हुणों लागलो की, आपल्यागेर जो पुत्र जाला त्या पुत्रान काय तर केला. तो पुत्र म्हुणों लागलो की आपल्या मळे शिंपूंक गेल्ले कडेन म्हुणों लागलो की समुद्रांत तर मेळलेलो.

इतली खबर कन्ये सांगला रे,
इतली गबर कन्ये सांगला मूं.

: इतली काय खबर सांगून, सारीं काय फुलां इकून तर तो काय गेला. आनी ते नंतर ते कन्येन काय आपलें माथें - बिथें फणयेन काय केंस तर

उगयले आनी ते नंतर म्हण्टा चंवर - पिड्डुके काय मोठे दाळ तर घायल्या.

बरो फुलीं झेलो सोदता रे,
बारीकसाणेन पळयला मूं.

: पळयल्यार म्हण्टा की, त्या हेतूंक काय त्या कुंवरा नांवाची चीट काय ती तर मेळळ्या.

वाचों लागली कन्या पळोवपा रे,
वाचों लागली नी पळोवपा मूं.

नांव माणकावंत कुंवर रे,
नांव माणकावंत कुंवर मूं.

: इतल्यो खबरी जातापासून म्हण्टा बारा वर्सां काय भल्लीं नी, बारा वर्सां सपरूण तर जाला.

कन्येन पत्र नी बरयला रे,
कन्येन पत्र नी बरयला मूं.

: अशें काय तें पत्र बरयलें आनी त्या पवनराजा काय मोठें धाडून तर दिलां, आता म्हुणोंक लागली कीं तुजी लग्नाची ताकतीक काय जावंद्या. आता बारा वर्सां सोंपून काय तुज्या ताब्यांत तर पडल्या.

तुज्या सुवादीन जाला रे,
आता तुज्या नी सुवादीन मूं.

: अशीं काय बारा वर्सां सोंपून आता काय तुज्या हातीन तर पडलें. आता काय तुज्या लग्नाची ताकतीक काय बेगीन तर जावूंक तर जायी.

राजा खुशाल तो जाला रे,
राजा खुशाल तो जाला मूं.

: अशें काय गांवोन गांव म्हण्टा पत्र धाडलें, सोयरे - दायरे म्हण्टा, होवळे - माटोव म्हण्टा जमोवन तयार तर केल्या.

राजा लग्न तेवूं जाता रे,
राजा लग्न नी तें जाता मूं.

: अशातरेन म्हण्टा, जवळी हाडून काय सगळ्या तरेन करून काय राजा काय मोठी कन्ये हाडूंक तर गेला.

कन्ये घेवन राजा गेला रे,
कन्ये घेवन राजा गेला मूं.

: आनी हो फुलकारालो भुरगो आसा तो म्हुणों लागलो की, बाप्पा म्हुणों लागलो की, आज आपूण एकटो फुलां घेवून काय फिरों तर वयता.

आपूण एकटो राज्यां वयता रे,
आपूण एकटो राज्यां वयता मूं.

: आरे बाप्पा म्हुणों लागलो की तूं येय नाका, आपूण म्हुणों लागलो तूं आसतना एक दीस कोणा पयलीं दिवपाचीं, कोणा मागीर दिवपाचीं सगळीं काय पळोवन तर येता. आनी आपलो करण घेतला आनी मोठो काय राज्यां चलों तर लागला.

बरीं फुलां इकों लागला रे,
बरीं फुलां इकों लागला मूं.

: असो काय इकत इकत म्हण्टा की तेगेल्या माटवाडे पावला, आनी तेचो लग्नाचो, म्हुर्ताचो येळ तर पावला.

बरो म्हुर्ताचो तेचो येळ रे,
बरो भरता तेचो येळ मूं.

: आनी हो भुरगो आसा तो आपूण माटवा भायर काय मोठो तर बसला आनी मोठो लोक काय, सगळो लोक काय राजालें लग्न म्हण्टा आनी सगळे माटवां तर बसल्यां.

बरो लग्ना म्हुर्त जाला रे,
बरो लग्ना म्हुर्त जाला मूं.

: असो काय कन्ये माळ घालूंक राजा येता, राजकन्येन काय कोण वर्तुमान तर केला.

तुजी माळा मागीर घेता रे,
तुजी माळा मागीर घेता मूं.

: पयली काय माळा घेत जाल्यार की, नाल्लबंद कुंवराली, माणकावंत कुंवराली काणी कोणें जाल्यार सांगो तर जायी. आनी मागीर म्हुणों लागली तुजी काय राजा माळा घेवूंक आपली हरकत काय ना.

तिवूं नाल्लबंद कुंवराली रे,
तिवूं माणकावंत कुंवराली मूं.

: इतल्यान म्हण्टा राजा थक्क जावन उबो रावलो आनी सगळो लोक काय सुको काय जाला. आरे म्हण्टा, नाल्लबंद कुंवराली म्हण्टा, माणकावंत कुंवराली काणी काय कोण आयकून काय मोठी तर जाणा.

हिवूं कन्ये कशी जाणा रे,
हिवूं काणी सांग म्हण्टा मू.

: अशातरेन राजा आसा तो कोण जाल्यार कळटा जाल्यार म्हण्टा सांगा नी, बेगीन तर लग्न तर जावों तर जायें.

अशें लोकां ताकीद दिलां रे,
अशें लोकां ताकीद दिलां मूं.

: आरे कोणा कळटा काय म्हटल्यार कोणूच काय म्हण्टा, हांव ना तूं ना, तुका खबर ना म्हटल्यार सगळो लोक काय खबर ना तर म्हण्टा. आनी तिये इचारता तुका काय कोणी तर सांगला.

तिवूं आसा म्हण सांगता रे,
नाल्लबंद कुंवरा काणी मूं.

: सांगल्यार म्हुणों लागली की, त्या फुलकारा भुरग्यान म्हुणों लागली की सांगल्यार तर जायत. तेका काय आपोवन व्हेलो आनी आरे बाबा म्हुणों लागलो की तुका कळटा जाल्यार म्हुणों लागलो की तूं तर सांग.

आपल्या सारी कंथा कळटा रे,
आपल्या बाप्पान सांगलेली मूं.

: ती काणी सांगता जाल्यार म्हुणों लागलो की तुमगेली लग्ना हाडलेली तितकी जवळी न्हवऱ्या भोंवतें घालूंक जायी तर सोडूं तर जायी.

न्हवऱ्या प्रदेक्षणां[३०] काडूं जायी रे,
मागीर सांगता तिवूं काणी मूं.

---

३० - प्रदेक्षणा = प्रदक्षणा, भोंवड्यो

:अशी काय न्हवऱ्या जवळी आसा तितकी न्हवऱ्या भोंवती घायली आनी ते नंतर तो कुंवर मोठो काय भितर तर येयला.

बरो म्हेंडी मुळां बसला रे,
बरो कडे - कोपराक तो बसला मूं.

:असो काय म्हुणों लागलो की आता तर आपूण नाल्लबंद कुंवराली, माणकावंत कुंवराली काणी तर सांगता. असो काय त्या इक्रामंत राजाक म्हण्टा, कुंवर म्हण्टा, भुरगें ना बाळ म्हण्टा की तो निर्मळ वांझो तर आसलेलो.

बरो इक्रामंत राजा रे,
बरो इक्रामंत राजा मूं.

: असो काय इक्रामंत राजा भुरगें ना बाळ म्हण्टा, तेगे आसा ती राणी तारामंत म्हण्टा, लोकां शिंपल्यांनी द्रियें काय वांट्टाली.

हिवूं खबर देवां कळ्ळ्या रे,
हिवूं खबर देवां कळ्ळ्या मूं.

: अशें काय इशणु - बरमा म्हण्टा सगळे काय बुद्धी करून म्हण्टा त्या शनीदेवाक म्हण्टा इक्रामंत राज्यां तर धाडला. असो काय जोगव्या रूपान येवन म्हण्टा तेणी काय तेंचो मोठो धर्म काय घेतला.

पुत्र-फळा मार्ग सांगला रे,
पुत्र - फळां मार्ग सांगला मूं.

: अशें काय राजा पुत्रफळ मेळटलें जाल्यार त्या राजतळ्यां, बांभळी कांट्यार देड म्हयनो काडूं तर जायो. अशें देड म्हयनी रावों जायें म्हण सांगलें, नंतर अशें काय राजा वचून तर रावला.

देड म्हयनो फळदीक जाला रे,
त्यावूं मध्याने काळे राती मूं.

: असो काय इश्णु काय प्रशेण जालो आनी तेका काय फळ तर दिलें आनी तें फळ हाडलें आनी राजान काय राणीन दोगांयनीय वांटून तर खाल्लें.

दोगूय कुंवर जल्मा येयल्या रे,
दोगूय कुंवर जल्मा येयल्या मूं.

: नांवरशी येयल्या म्हण्टा, एक काय नाल्लबंद आनी एक काय माणकावंत कुंवर काय जल्मा तर येयल्या. अश्यो काय तेंच्यो नांवरशी येयल्या नंतर तेंचें जातक पळोवन काय परधान काय सुशेग तर बसला.

तेंच्या सटयेच्या नी दिसा रे,
तेंच्या सटयेच्या नी दिसा मूं.

: बरें काय राजान लोकां हाडून मट्टण घालतलो म्हण काय भोंवडी तर सांगली. आनी त्या भोंवडी दिसा काय सात - पांच दिसांकडेन काय ते मोठे काय आपली ती घोडी काय ती घेवून काय त्या पवन राज्यां तर चल्लें.

बरे पवन राज्यां चल्ले रे,
बरे पवन गड देंवले मूं.

: असो काय पवनगड देंवले आनी त्या पिंपळापेडार काय बसले, त्या माणकावंत कुंवरा दास्सुन काय माल्लो.

अश्यो खबरी राजा जाल्या रे,
अश्यो खबरी राजा घडल्या मूं.

: असो काय त्या बेब्या मारता आनी त्या बेब्याचें मरण, पवन राजाचें मरण आसलें, तो पवन राजा तर मेलो. आनी तीं दोनय पित्रां घेवन तीं दोगय मार्गा तर चलों तर लागलीं.

एक नाल्लबंद कुंवर रे,
एक पवन राजाची बायल मूं.

: तो आपल्या बंधवा म्हण्टा, घोड्यार म्हण्टा पित्र काय घेवन वयतालो आनी तेची पवन राजाची बायल काय पवन राजाचें पित्र घेवन काय तर वयताली. आनी दोगांचे म्हण्टा मरण - पित्र काय सोडलें आनी दोगां आसा तीं काय पवन राज्यां तर गेलीं.

पवन राज्यां आयला रे,
पवन गड नी घेतला मूं.

: असो नाल्लबंद कुंवर आसा तो त्या पवन राज्यां वचून काय तो पवन गड काय मोठो तर घेतला आनी तेणीं म्हण्टा मोठीं मेटां घालून म्हण्टा मोठे शिपाय - पेदे घालून मोठे सुरशा काय शिपाय - पेदे रावल्या.

कोण मौज नी घडला रे,
कोण मौज नी घडला मूं.

: अशे काय त्या वटेन गारूडी बसोन दोनीं पित्रां काय तेणी तपाशिलीं. एक म्हण्टा की माणकावंत कुंवरालें आसा तें दास्सुन माल्लेलें आनी नंतर तेणी गारूडपण करून नागशेर वाजोवन ते नाग हाडून म्हण्टा तेचें विशें तर वोडलें.

तेन्ना जिवदान कुंवरा जाला रे,
माणकावंत नी तो कुंवर मूं.

: अशें त्या बेब्या आनी जिवदान करून त्या पवन राजा जिवदान करपाचो म्हटल्यार तो काय सोडून तर गेला आनी तो माणकावंत कुंवर आसा तो आपले घोडयेर बसून काय त्या पवन राज्यां तर चलों लागला.

तेच्या शिपायांनी केला रे,
घोडये हात - पांये नी कापल्या मूं.

: आनी त्या माणकावंत कुंवरा काय तासयलो आनी मोठो काय त्या रेंये तर भल्ला.

नाल्लबंद कुंवर आयकता रे,
धळधळ्यां रडों कुंवर लागला मूं.

: आपल्या बंधवाची, फाटभावाची कंथा सांगता आनी मोठी काय आपणें शिपायां - सोलदारां सांगून काय मोठी आपणें हत्या तर केली.

बरें येवजूं कुंवरा जाला रे,
कुंवर धळधळ्यां रडटा मूं.

: इतलें करून म्हण्टा तेका रेंयेंत पुल्लेलो म्हण्टा की भटा काय मोठो तर मेळ्ळो. आनी भटान त्या अर्दान घाटार तर वचून वखद - पाणी करनाका त्या अर्दान म्हण्टा भटीण काय तेका त्रास करोंक तर लागल्या.

त्या माणकावंत कुंवरा रे,
हाडलेलो म्हण भटा ज्यास्ती मूं.

: त्या भटा एक दीस अन्न काय सारकें ती भटीण तर खावों दिना. त्या माणकावंत कुंवरान आपलीं आसा तीं रत्नां काय काडून तर दिलीं. त्या माणकावंत कुंवरान आपलीं दोन रत्नां काय काडून तर दिलीं.

तिवूं पवन राजा दिला रे,
तिवूं पवन राजा दिला मूं.

कुंवरा कळत तें वयता रे,
खरो बंधू नी बंधव मूं.

: अशी ही काणी सांगून काय घेता आनी नाल्लबंद कुंवर आसा.तो काय धळधळ्यां रडत तर वयता. आनी ते नंतर म्हण्टा तेका काय तारवार काय मोठे दरेक तर दिलां.

कुंवरा दरेक तो दिला रे,
त्यावू नाल्लबंदा तारवा मूं.

: अशें काय कुंवरा इतकें कळोन येयला आनी कुंवर काय कोण वर्तुमान तर करता. आपलो बंधु म्हण्टा इतको जिवेंत आसतना इतको काय त्रास आपूण करीत तर वयता.

बरो दिपयाग गायता रे,
बरो दिपयाग गायता मूं.

: असो काय तारवार कुंयार पावलेलेकडेन म्हण्टा थंयच्या चुलिपोल्ल्याकडेन वयर धुकटा बसून काय तो माणकावंत कुंवर काय मोठे दिपराग काय गावोंक तर लागला. आनी दिपराग गायता, दिपरत्लां पेटयता, दिपरत्लां वाडयता, या तरेन म्हण्टा तर करता.

त्यावूं राजकन्येन आयकलां रे,
त्यावूं राजाले ते कन्येन मूं.

:अशें सात समिंदरां म्हण्टा भायर काय तारवां गेलेलीं, सात समिंदरां भायर काय कन्येन आयकलां. आनी तेयेन म्हण्टा काय मोठो नवूस घेवन

काय सभा तर बसयल्या. आनी दिपराग, दिपरल्तां गायता तेचेकडेन म्हण्टा आपूण काय लग्न तर जातली म्हण हतया सोंडार काय माळ तर दवल्ली.

अशें पांच फावटी घायल्या रे,
त्यावूं गळ्या नी कुंवराक मूं.

: असो काय त्यानंतर सगळो लोक काय सडसडींत उठून आप-आपले घरी चल्ले आनी कन्या काय वचून पेटें तर बसला आनी तो नाल्लबंद कुंवर म्हण्टा ती पेट काय नंतर घेवन काय तारवार तर येयला.

तेका काय भायल्यान लागलां रे,
परशाडे[३१] कुंवर बसला मूं.

: तेका फांपार माल्ला नी नाल्लबंद कुंवराक काय समुद्रांत तर वडयला.

तोवूं सागरांत गुप्त जाला रे,
तोवूं सागरांत गुप्त जालां मूं.

: अशें काय ते कन्येन काय फळें तर काडलें आनी त्या फळ्याचेर पोट घान्न[३२] काय तो मळेकारा तर मेळ्ळा. आनी त्या फुलकारांनी सांबाळून म्हण्टा तो काय फुलां इकूंक लागला,

कुंवरा खरें तें दिसता रे,
नाल्लबंद नी कुंवराक मूं.

: आनी तो राजा आसा तो म्हण्टा ते कन्येडेन मोठो लग्न काय जावूंक काय ती कन्या आसा ती हातीक काय मोठी माळा तर घेवन आसा.

३१- परशाडे = परसाकडेन, सकाळची शारीरीक विधी
३२- घान्न = घालून

होवूं नाल्लबंद कुंवर रे,
होवूं नाल्लबंद कुंवर मूं

: आनी त्या माणकावंत कुंवरा बायल काय नीं, तो नाल्लबंद कुंवर म्हण्टा लग्न काय जावूं जाता.

काणी माणकावंत कुंवरा रे
लोकां काणी नी सांगता मूं.

: तेन्ना नाल्लबंद कुंवर आसा तो कपल्यां मारून काय मोठो जीव काय आपलो सोडूं तर पळयता.

माणकावंत नी कुंवर रे,
व्हड धांवत नी सरला मूं.

: आरे दादो म्हुणों लागलो की आपल्या पासत म्हुणों लागलो की तूं काय चिंता करुं नाका तूं काय रडों तर नाका. आपूण म्हण्टा इतले त्रास करून काय आता म्हण्टा तुका काय मेळ्ळा.

तेवूं लग्न नी थिंगा जाता रे,
माणकावंत नी कुंवराक मूं.

: नाल्लबंद कुंवर आसा तो ते कन्येकडेन जावपाचो तें लग्न काय माणकावंत कुंवर काय जाला.

बरें तेवूं लग्न जालां रे,
तेवूं लग्न पवन राज्यां मूं.

: अशें काय पवनराज्यां लग्न जाल्लें, आनी तें राजा म्हण्टा काय सगळें त्या मळेकारा - फुलकारा तर सोडला.

दोगांयनी मार्ग नी धरिला रे,
तेवूं आपल्या नी राज्यांक मूं.

: त्या इक्रामंत राज्यां येवन काय म्हण्टा ते आई-बाप्पा नमस्कार तर करता. आनी ते म्हण्टा राज्यांत काय सुशेग तर बसल्या नी शिंवासनार काय दोगू तर बसल्या.

तेंच्या नांवान राज्य चलता रे,
नाल्लबंद - माणकावंत कुंवराच्या मू.

: अशे काय नाल्लबंद कुंवर नी माणकावंत काय शिंवासनार बसून काय दोगू हें राज्य काय चलयता.

बरें आनंदात राज्य करूं रे,
बरें आनंदात राज्य करूं मू.

रेखाचित्र - आ



... अशातरेन साधूचें हाल हाल काय मोठे तर करूं लागता!

२. भोजराजा आनी साधू

गावपी : श्री. जानु गांवकार

सांगाती : श्री. सगुण गांवकार,
श्री. भिकारो गांवकार

दीस गेला कामा - धंद्या रे,
दीस गेला कामा - धंद्या मूं.

रात आली आनंदाची रे,
रात आली आनंदाची मूं.

पटी वाचूं गोयिंदाची रे,
पटी वाचूं गोयिंदाची मूं.

सांग सांग रामा काणी रे,
सांग सांग रामा काणी मूं.

काणी सांगची जाणो-यांनी रे,
आयकों बसची जनलोकांनी मूं.

कंथा वर्तू राजाची रे,
कंथा वर्तू राजाची मूं.

बरो भोज नी राजा रे,
बरो भोज नी राजा मूं.

: असो काय भोज काय राजा मोठो तर आसा. आनी राजा जेवूंक - खावूंक काय अशातरेन पुश्कळ तर आसा. आनी एक दिसा राज्यांत कोण वर्तुमान तर जाता.

बरो साधू नी तो एक रे,
बरो साधू नी तो गुरू मूं.

: असो काय मोठो एक साधू काय भोजराज्यां एक दीस तर येता आनी अटंगी रानांत - मळार काय बरो तर रावता.

बरो गौड-फितीस करता रे,
बरो गौड - फितीस करता मूं.

: असो काय तो साधू गौड - फितीस, जादु-मंत्री काय तर करता आनी भोज राज जळ्ळें, भोज राज जळ्ळें, म्हुणोन बोंब काय तर मारता.

बरो साधू बोंब मारता रे,
बरो साधू बोंब मारता मूं.

: असो काय लोक तर येवन राजा सांगता, शिपाय - पेदे येवन राजा खबर तर करता.

राजाक धांवत सांगों येता रे,
राजाक धांवत सांगों येता मूं.

: राजा खबर कळ्ळा आनी धांवत काय राजा तर गेला. आनी तो काय

साधू इचार तर करता. आरे साधू म्हुणों लागलो की, गुरू बाप्पा म्हुणों लागलो की, तूं ह्या तरेन, भोज राज जळ्ळें, भोज राज जळ्ळें, म्हुणोन कित्या बोंब काय तर मारता.

राजान साधू इचार तो केला रे,
राजान साधू इचार तो केला मूं.

: आरे राजधनया म्हुणों लागलो की आपूण बोंब मारपाची थांबतलो जाल्यार तुमी जेवणां काय तर जायीं आपल्या पावपाक.

बरें जेवण जायें पावपा रे,
बरें जेवण जायें पावपा मूं.

: आरे म्हुणों लागलो की, गुरू बाप्पा म्हुणों लागलो की, आपल्या काय एक सात जाणी सुनो, तेमी कोणें जेवण पावयल्यार काय तर जाता. तेन्ना साधू म्हुणों लागलो की ना, तशें कांय तर ना. जेवण काय एक तर तुयें जायें पावोवपाक ना तर तुजे धाकटे सुनेन, जाल्यार तर तुजें राज्य तर उरतलें.

राजा परतून घरा येयला रे,
राजा परतून घरा येयला मूं.

: अशें काय राजान उदक-पाणी न्हावोन संध्या काय तर केल्या आनी जेवणाचें ताट काय तर घेवून वयता.

बरो तेच्या बंगल्यार वयता रे,
बरो साधू बंगल्यार वयता मूं.

: असो काय राजा दर दिसा त्या साधू-जोगव्याक काय जेवण तर पावयता आनी अशातरेन दोन - चार वर्सां काय वयता.

राजा शिकारे याद जाल्या रे,
राजा शिकारे याद जाल्या मूं.

: अशे काय शिपाय - पेद्यां पाठोवन, गांवोन गांव काय सांगोन तर धाडटा, बरी आयतारा दिसा काय भोंवडी घालया म्हुणोन सोलदारां काय तयारी करूंक तर लायल्या.

तुमचें खाणें - पिणें हाडा रे,
तुमचें खाणें - पिणें हाडा मूं.

: अशी काय सगळी तयारी करून, बंदुको खांदा लावन सगळे काय त्या भोजाच्या राज्यां पावल्या.

बरें चंदणसूर मळा रे,
राजा सभा नी बसल्या मूं.

: अशे काय सगळे लोक राजाले भोंवडे काय जमा तर जाल्या. दारू-गुळो, भालो-सुरो सगळे काय हाडून तर एक वडयता, काय फाल्यां सकाळीं पिल्ले दोंगरा काय भोंवडे तर वयचें.

बरो सकाळच्या नी पारा रे
राजा भोंवडे भायर सल्ला मू.

: असो काय सगळो लोक, शिपाय - पेदे काय बरोबर घेवन राजा काय सकाळच्या पारा भोंवडे काय भायर तर सल्ला आनी सकाळच्यान काय बोंबो मारता, सांजेचो पार काय तर जाला.

बरो तानेन तानेला रे,
बरो भुकेन भुकेला मूं.

: असो काय राजा तानेन तानेला, भुकेन भुकेला, बरो काय थकस तेका येयला आनी सरगदन काय तो तर जाता. आनी ह्या येळार म्हुणों लागलो की भोंवडे काय आमी परते तर या. असो काय सगळो लोक आसा तो आप-आपल्या घरी गेला आनी राजा काय आपल्या राज़घरी वचोंन उदक - धाणी न्हावोन काय संध्या-आंगोळी तर केल्या.

साधू याद देवा नायी रे,
साधू याद देवा नायी मूं.

: आनी अशी राणी आसा ती काय सर्वणाचें ताट वाडून तर दवल्ल्या आनी ते नंतर राजा आसा तो काय वचोंन ताटार तर बसला.

पयली उंडी मुखीं ग्राशीला रे,
पयली उंडी मुखीं ग्राशीला मूं.

: आनी ह्या वटेन साधू काय साधना करता आनी राजाची उंडी वचोन हड्ड्यां काय मुखीं तर लागता. उडी भायर काय सरना, भितर काय तर वचना.

राजा जीव नी तो वयता रे,
राजा हुस्कार नी बंद जाला मूं.

: अशे काय राजाचे दोळे वरशे काय तांबडे तर जाले आनी राजा जाप काय तर येयना.

राजा साधू याद जाला रे,
राजा साधू याद जाला मूं.

: असो काय राजा हातीन तर दाखयता, साधूक जेवण पावोवंक जायें म्हण काय तर सांगता. अशें काय राणये, काय सगळ्या लोकांक, पुतांक इचार काय पडटा.

कोण नी देवा वयतलो रे,
जेवण नी तो घेवन मूं.

: आनी ह्या येळार राजा काय आपलें सातयें बोट काय दाखयता, सातये सुनेक जेवण घेवन वच म्हुणोन कुरू काय तर करता. आनी सातयी सून आसा ती आपलो जाण्टेलो मांव तेका उतर काय दिवन ती कन्या काय भायर तर सरता. ते कन्येन ताट वयर हातांत काय तर घेयलां आनी ती काय दारांत तर पावल्या, आनी ती काय दरवजां तर आदळटा.

कन्ये शकून नी घडला रे,
कन्ये शकून नी घडला मूं.

: अशी काय ती कन्या पाडा पोडो म्हण्टा, आनी आंगणा काय तर पावता, वचोन आंगणा मेरेक काय तर आपटता.

दोन शकून घडला रे,
दोन शकून घडला मूं.

: तेन्ना कन्या परती पाडा पोडो म्हण्टा आनी मुखार तर वता, मुखार गेल्यार पांय काय तिचो निसरता.

तीन शकून कन्ये घडला रे,
तीन शकून कन्ये घडला मूं.

: कितें जाता तें जावूं म्हण्टा, कितें घडटा तें घडूं म्हण्टा, कन्या काय त्या मार्गार, त्या मळार काय तर पावता. तेन्ना त्या साधूचो कीर आसा तो काय बरें भाशणां तर उलोवंक लागला, साधूक जागोवंक काय तर लागला.

दान दान घेवंक यो म्हण्टा रे,
दान दान घेवंक यो म्हण्टा मूं.

: तेन्ना तो साधू आसा तो भायर काय तर येना आनी ते कन्ये म्हण्टा की भितर तर यो.

कसो ताटा हात लायना रे,
कसो ताटा हात लायना मूं.

: अशी काय ती मोठी परसंगार, येळार भितर तर सल्ली, ती काय इचार तर करूंक लागली आनी ह्या वटेन बंगल्याचें दार काय आपशीच बंद तर जालां.

मोठो पाशाणी तो बंगलो रे,
मोठो पाशाणी तो बंगलो मूं.

: अशें काय त्या बंगल्याचें दार बंद जालें आनी ती कन्या काय भितर बंद तर उल्या. त्या येळार त्या साधून मोठो जप-मंत्र काय केलो आनी तो बंगलो वयर वायुमंडळा - आकाशां काय उडूं तर लागला.

सर्गीं आकाशीं भिडला रे,
सर्गीं आकाशीं भिडला मूं.

: तो बंगलो काय तर उडलो आनी सात समदिरा भायर काय पावलो आनी ती कन्या भयाभीत जावन बोंब तर मारूं लागली, तिका कोण उपाय एक ना म्हण येवजूंक तर लागली. आनी त्या येळार राजाची उंडी काय भायर तर सरता आनी राजा आसा तो बरो काय तर उठलो.

राजा सुशेग नी जाला रे,
राजा सुशेग नी जाला मूं.

: अशी काय राजा ह्या येळार सातये सुने काय ते कन्ये याद तर जाल्या आनी शिपाय काय पेदे राजान सोदा तर धाडल्या. आनी त्या मळार गेल्यार कन्या ना बंगलो काय एक तर ना, अशा तरेन नवलां तर घडटा.

राजा घात नी घडला रे,
राजा घात नी घडला मूं

: असो काय राजा घात घडटा आनी राजा काय मोठो दुखी तर जाता.

मळार कुस्कुट नायी कुरा रे,
मळार कुस्कुट नायी कुरा मूं.

: तेन्ना राजाचे सात जाण कुंवर आसा ते म्हण्टा की आपूण काय ते भावजेले खबरी तर वयता. अशें म्हुणोन काय ते कुंवर मार्गां काय रस्त्या तर चलोंक लागल्या.

बरे रानां कुंवर चलता रे,
बरे मार्गा कुंवर चलता मूं.

: अशे काय ते कुंवर बरे मार्ग चलता आनी काय ते पावून पावना, वाट काय तेंची सोंपून तर सोंपना. अशें करता करता काय पावले ते बरे समुद्राच्या तिरा.

बरो समुद्राचो तीर रे,
बरो समुद्राचो तीर मूं.

: अशे समुद्राच्या तिरार पावल्यार काय तेंका वचपा वाट ना, दार ना काय साकोंव ना, पूल तर ना, अशातरेन काय तर घडला.

घात जल्माचो तो जाला रे,
घात जल्माचो तो जाला मूं.

: आरे दादो म्हण्टा, परतून काय घरा गेल्यार काय आमकां व्हुनी काय तर मेळना, आमी तेन्ना सात समुद्र काय पोवन तर या, अशें म्हुणोन काय बुद्धी तर करता, मेल्यार काय आमी सातय जाण मरचे, उरल्यार काय सात जाण तर उरतले. आनी समुद्र पोवन गेल्यार म्हण्टा की तेंका एक मोठें मळ काय तर लागला.

बरें चंदणसूर मळ रे,
बरें चंदणसूर मळ मूं.

: अशे काय चंदणसूर मळार पावल्यार मळण ती काय आज्जी बरी ताळ्यां काय झोपडी बांदल्या आनी काय मोठी तर आसा. आरे बाबा पुता, म्हुणोंक लागली की तुमी कोणाचे कोण आनी हांगा ह्या तरेन कित्या तर आयल्या.

तुमी सुर्या सारके बाळ रे,
तुमी सुर्या सारके बाळ मूं.

: आरे बाबा म्हुणों लागली की, हें राज्य आसा तें काय मोठें पाडा - घट्टणाचें, हांगा येतले लोक काय मोठे तरासां तर पडटा. आगे आज्जे म्हुणों लागले की, आमी आमचे भावजे तर व्हरों येयल्या, तेन्ना तूं काय आमकां वाट तर सांग, तेचें घर तर दाखय. आरे बाबा म्हुणों लागली की, तो साधू आसा तो काय मोठो गौडबंगाली, तो काय ते वस्तुरेक रात-दीस तरास करता, जादु-फितीस करता, लिंबू नी करता, कीर करता नी एक तर साळू तर करता.

असल्यो खबरी नी तो करता रे,
असल्यो खबरी नी तो करता मूं

: तेन्ना ते म्हुणों लागले की, तेचें कितें करपाचें तें कांय आमी तर करता, तूं काय म्हुणों लागले की तेच्या घराची वाट तर सांग.

बरें राज्य नी भोंवता रे,
बरें राज्य नी भोंवता मूं.

: अशें सारे काय राज्य भोंवत, सातय कुंवर काय त्या बंगल्याडे तर पावल्या, आनी तो साधू आसा तो भोंवोंक तर गेला.

पडयेर किरा नी पांजरो रे,
पडयेर किरा नी पांजरो मूं.

: अशी काय पाशाणी दाराची वाट काय मेळटा आनी कुंवर आसा ते काय बंगल्यांत भितर तर सरता, आनी तो कीर काय बोंब नी मारता.

साधू भावा खबर कळ्ळा रे,
साधू भावा खबर कळ्ळा मूं.

: अशे काय त्या साधून मंत्र-जप जपले, सात जाण कुंवरांच्यो काय पाशाणी शिळा तर करून वडयल्या.

हिवूं खबर भोजा कळ्ळा रे,
हिवूं खबर भोजा कळ्ळा मूं.

: देवा म्हुणो लागलो की, रण जालें राज्य काय म्हुणों लागलो की, येतले वयतले म्हटल्यार कोण काय ना, सात जाण कुंवर काय रणांत तर पडले.

राज्यां कोण तोवूं नायी रे,
राज्या रण तेवूं जालें मूं.

ानी अशे काय ह्या वटेन कोण वर्तुमान तर घडटा, भोज राजाच्यो
वू जाणी सुनो काय गुरवार तर जाता.

राणयो गुरवार त्यो जाल्यो रे,
राणयां दीस ते भरले मूं.

अशे काय आठ - णव म्हयने तर जाले आनी राणयो काय मोठयो
रसूद जाल्यो. सव जाण बाळ काय जल्मा तर येयल्या.

बरी नांव ती नांवरस रे,
बरी नांव ती नांवरस मूं.

अशी काय बरी नांवरस येयल्या नी एका कुंवराची 'काळवैदास' म्हण
ांवरस तर येयल्या. अशे काय दिशीं - दिशीं सगळे वाडटात, बरे शाळे
ाय वयतात, बरे कुलेजी काय तर कुंवर वयतात.

बरें शिक्षण नी करता रे,
बरें शिक्षण नी करता मूं.

बरे एका मायथ्याक काय शाळे वयतात, एका मायथ्याक काय
ळटात, बरे भुरग्यां बरोबर काय तर वयतात.

विटी-दांडुचो तो खेळ रे,
विटी - दांडुचो तो खेळ मूं.

असो काय त्या कुंवराचो खेळ काय कोणाच्यान तर पाडूंक तर जायना
ानी ते भुरगे काय ज्यास्ती नी तेंकां काय तर बोलतात. तुमकां काय
ापूय नासतना, तुमी आवयगेर जल्मां काय तर येयल्या, तुमी काय

राणेपोर तर आसात. कुंवर काय केंसांक एक एक गांठ तर मारून घेतात.

कुंवर मारता केंसां गांठ रे,
सव जाण ते कुंवर मूं.

: आरे म्हुणों लागले की, आमी कितलेय तकलेन आसल्यारपसून बापूय नासतना आसल्यार लोक काय आमकां राणेचे, पोटाचें म्हुणोन आणें तर मारता.

देवा धळधळयां रडटा रे,
पोर धळधळयां रडटा मूं.

: अशे काय उठ्ठात आनी केंसां काय गांठ मारून काय घराकडेन तर येतात आनी निंद्रा काय बरी तर करतात. सकाळीं उठ्ठना काय तेंकां शाळेंक धाडूंक काय तेंच्यो आवयो उदक-पाणी काय न्हाववयतात आनी तेल-पाणी करून केंस काय वळोंवक तर लागतात.

आवयक काय नी मेळला रे,
केंसां गांठी नी मेळला मूं.

: आरे बाबा म्हुणों लागली की, तुमी हें कसलें काय, ह्यो केंसां कित्या गांठी तर माल्ल्या. आगे आई, म्हुणो लागले की, तुका कितें सांगों म्हुणों लागले की, आमकां बापूय ना म्हुणोन काय लोक ज्यास्ती तर मारतात, आणे काय तर मारतात.

आमचे बाप्पा आई खंय गे,
आमचे बाप्पा आई खंय मूं.

: आरे बाबा म्हुणो लागली की, तुमचे बाप्पा काय तर तुमचे मावशे हाडूं गेल्लेकडने रणां काय तर पडल्या आनी त्या नंतर तुमी जल्मांक येयल्यांत. ते पसत लोक काय तुमकां आणे काय मारता, राणे-पोटाचे काय तर म्हण्टात. आज जर तुमचे बाप्पा आसल्यार काय तुमचे असले कोण काय तर नासले. आनी घोव नासले बायले तो मान काय ह्या संवसारांत तर ना.

कुंवरां इचार तो पडला रे,
कुंवरां इचार तो पडला मूं.

: अशे काय कुंवर कपडे काय घालता आनी केंस कशेय काय बांदून तो काय भायर तर सरला.

पांचय ते नी कुंवर रे,
बाप्पा सोदी नी ते वयता मूं.

: असो काय सवो आसा तो, धाकटो नी काय काळवैदास, तेका काय बुद्धी नी कळटा, तो काय तेंच्या फाटल्यान तर वयता.

काळवैदास नी तो कुंवर रे,
धाकटो नी तो कुंवर मूं.

: आरे दादो म्हुणों लागलो की, तुमी काय कित्यापसत आपल्या साणून तर चल्ल्या. आरे म्हुणों लागले की, आमी आमच्या बाप्पा सोदांत तर चल्ल्या. थंय वयतो जाल्यार म्हुणों लागले की गाड्यो - बिडयो कांय एक तर ना, आनी जोतें ना बूट घालनासतना, उगड्या पांयांनी काय तर वयतात. ते पासत म्हुणों लागले की भावा आमी तुका साणोन तर वयतात. आरे दादो म्हुणों लागलो की, कितलेय तरास आसल्यार आसूं म्हुणों लागलो, आपूण तुमच्या बराबर तर येता, तुमकां कित्या पूण गरजे आपूण लागतलो.

पावले समुद्राच्या तिरा रे,
पावले समुद्राच्या तिरा मूं.

: अशो काय कुंवर समुद्राच्या तिरा पावले, आनी हर म्हादेव काय घातला, नदींत काय उडी तर घेतल्या.

पोवन समुद्र तो सोंपला रे,
पोवन समुद्र तो सोंपला मूं.

: अशो काय पयले तडीक सवूय कुंवर काय उतरले आनी म्हातारी आज्जी काय तेंका तर मेळळ्या.

म्हाजे आज्जे नी ते आज्जे गे,
म्हाजे आज्जे नी ते आज्जे मूं.

: आगे म्हातारे, आज्जे म्हुणों लागले की हे राज्य काय कोणालें? ह्या राज्याचें नांव काय तर कितें? आरे बाबा म्हुणों लागली की तुमकां हें कित्या तर जायें, हें राज्य मोठें काय तर पाडा घट्टणाचें, ह्या राज्याचो साधू काय तर कोणाले भावाले बायले घेवन तर आसा. तो काय येतल्यां-वतल्यांक शिळा तर करून वडयता आनी कोणा इचारल्यार राज्यां काय कसल्यो खबरी तर कळना.

कसल्यो खबरी नी त्यो कळना रे,
राज्यां खबरी नी त्यो कळना मूं.

: अशी त्या कुंवरांनी काय त्या म्हातारेगेर वस्ती तर केली आनी तो काळवैदास कुंवर आसा तो काय लागलो बुद्धी नी करपाक, कशातरेन त्या राज्यां तर वचूं तर जायें.

साधू बंगल्यां नी वयता रे,
साधू बंगल्यां नी वयता मूं.

: अशो काय ते पांच जाण कुंवर न्हिदलेले आसता आनी तो काळवैदास कुंवर काय रातचो त्या साधू बंगल्यां नी वयता.

बरो मार्ग फुडें चलता रे,
बरो मार्ग फुडें चलता मूं.

: बरे रातीचो तो कुंवर काय मार्ग चलता, त्या साधू बंगल्यार पावल्यार काय भितर वचूंक वाट तर ना. आनी तो कुंवर काय परतो घुंवन येवन काय तर न्हिदता.

बरो कुंवर नी न्हिदता रे,
बरो कुंवर नी न्हिदता मूं.

: असो काय तो कुंवर बरो न्हिदता, णव वरां बुसून न्हिदता आनी ह्या वटेन पांच जाण भाव काय उठून मार्गा तर वचों लागता. आनी तो काळवैदास नंतर काय बरो उठ्ठा, ते म्हातारे आज्जे काय त्या साधूचें मरण तर मोठें इचारून घेता.

बरी गुप्त नी ती खबर रे,
बरी गुप्त नी ती खबर मूं.

: आनी त्या नंतर तो कुंवर काय काळवैदास त्या साधूल्या बंगल्याडे वयता, तेचे पांच जाण भाव आसा ते त्या बंगल्या दारांत काय तर पावल्या आनी वाट ना म्हुणोन काय फाटीं तर परतता. अशी ती कन्या आसा ती काय उपरासंगी[३३] माळयांत तर उबी आसा आनी तो कीर काय राखणे भायर तर आसा.

---

३३ - उपरासंगी = वयर चिरेबंदी माळयांत

साधू मरण किरा शिरा रे,
साधू मरण किरा शिरा मूं.

: असो काय तो काळवैदास काय मुखार तर सरता आनी त्या किराल्या गोमटे काय तर धरता. ह्या वटेन त्या साधू काय कडकडोन जोर काय तर भरता.

साधू धांवट तो येयला रे,
साधू धांवट तो येयला मूं.

: असो काय कुंवर किराचो दायो पांखटो काय तर मोडटा आनी ह्या वटेन साधूचो दायो हात काय तर मोडटा. असो किराचो उजवो पांखटो काय तर मोडटा तेन्ना साधूचो उजवो हात काय मोडटा. नंतर किराचो उजवो काय दायो पांयो तर तोडटा आनी साधूचो उजवो काय दायो पांयो तर तुटून पडटा. अशातरेन साधूचे हाल हाल काय मोठे तर करूं लागला.

दोनय हात साधू मोडला रे,
पांये नी साधू तुटला मूं.

: अशी काय साधू मोठी वरड काय तर मारता, काय मोठी मंत्रां काय जप तो जपन तर करूं लागता. आनी ह्या वटेन कुंवरान गोमटे किरा काय मोठो वळ तर माल्ला आनी साधू आसा तो काय मोठो रणां तर पडला.

किरा सप्त्या सागरां माल्ला रे,
किरा सप्त्या सागरां माल्ला मूं.

: अशी काय ते नंतर बावन बेतकाठी काय मेळळ्या, काळवैदास कुंवरान काय हातीं तर ती घेतल्या, आनी असो काय तो साधु बंगल्या भोंवतणी ती तर घुंवडायता.

साधू बंगलो तो फुटला रे,
साधू बंगलो तो फुटला मूं.

: आनी ते नंतर तो कुंवर काय तो कन्ये काय आपले मावशे घेवन भायर तर आयलो, सात जाण बंधवांची सात शिळा काय बावन बेतकाठी तर घुंवडायता, मंत्र काय जपन तर करता.

बरे कुंवर उठून ते बसले रे,
बरे कुंवर उठून ते बसले मूं.

: अशे काय त्या कुंवरांक आपले पुत्र म्हुणोन काय तें खबर ना, ते हांगां रणांत पडले आसतना त्या वटेन ते काय तर जमल्ले.

तुमी कोणाचे कोण रे,
तुमी कोणाचे कोण मूं.

: अशे काय ते कुंवर आपूण भोजराजाचे नातू म्हुणोन काय सांगोंक तर लागल्यांत, आनी तुमी कोणाचे कोण म्हुणोन काय तर इचारूं तर लागल्या.

आमी भोजाचे ते पुत्र रे,
आमी भोजाचे ते पुत्र मूं.

: अशे काय आपूण भोजराजाचे पुत्र म्हुणों लागले की आपले भावजे हाडूंक हांगां तर पावल्यांत आनी तेन्ना काय ते कुंवर आसा ते आपले पुत्र म्हुणोन काय तेंका वळख तर पटल्या आनी चौदा जाण काय मार्गा तर लागल्या.

बऱ्या भोजाच्या नी राज्यां रे,
बऱ्या आपल्या नी त्या घरा मूं.

: अशे काय ते चौदाय जाण समुद्राच्या तिरा येयले आनी काळवैदास काय तो बावन बेतकाठी काय तर घुंवडायता. त्या नंतर तो समुद्र काय वयलेकडे सुकत गेला आनी सकलेकडे काय वाट तर जाल्या.

बरे चालून ते चल्ले रे,
बरे पावून ते पावले मूं.

: अशे काय ते बरे चालून चाल्ले, पावून पावले, आनी ह्या तरेन काय भोजराज्यां तर पावता आनी आज्या काय आपल्या नमस्कार तर करता.

आज्या नमस्कार नी करता रे,
नातू नमस्कार नी करता मूं.

: अशे काय ते नातू नमस्कार करता आनी कोण वर्तुमान तर घडटा. असो काय तो भोजराजा म्हुणों लागलो, आपूण म्हुणों लागलो आता जाण्टो तर जाला, आता तर पुतांनो तुमी हें राज्य तर चलया. तेन्ना त्या सात जाण पुतांनी शिंवासनार बसून काय मोठें सुखान राज्य तर चलयलां आनी तेचें पूत काय शिकून मोठे तर जाता, आनी इतल्यान काय भोजराजाची कंथा काय ती तर सोंपल्या.

बरी कंथा नी ती सोंपल्या रे,
बरी कंथा नी ती सोंपल्या मूं.

गोंय सरकार

कला आनी संस्कृती संचालनालय

पणजी - गोंय

उजवाडायिल्ली पुस्तकां

१) गोवा, दमण व दिव संघप्रदेशातील शारिरीक शिक्षणाचा संक्षिप्त इतिहास (इंग्रजी) १९७५.

२) गोवा दमण दीव संघप्रदेशातील क्रीडा आणि खेळांचा विकास (इंग्रजी) १९७६.

३) राष्ट्रीय सेवा योजना (इंग्रजी) १९७७.

४) क्रीडांगणावरील अनभिषिक्त राजा दयानंद ऊर्फ भाऊसाहेब बांदोडकर (मराठी) १९७७.

५) लाल शालजोडी जरतारी (मराठी) १९७७.

६) फुटबॉल खेळ आणि गोवा (इंग्रजी) १९७८.

७) क्रीडा व सांस्कृतिक संचालनालयाची पहिली पाच वर्षे (इंग्रजी) १९७८

८) गोमंतकीय लोककला (मराठी) १९८०

९) गोमंतक पुण्यभूमी (मराठी) १९८१.

१०) चिरमुल्यो (कोंकणी) १९८३.

११) गोमंतकाचे रत्नदीप (मराठी) १९८४.

१२) क्रीडा व सांस्कृतिक संचालनालयाची दहा वर्षे (इंग्रजी) १९८४.

१३) गो.म.सा. आधुनिक शिल्पकार (मराठी) १९८४.

१४) गिजबिजलें (कोंकणी) १९८५.

१५) क्रीडा आणि स्वास्थ (मराठी) १९८५.

१६) गोवा दमण व दीव प्रदेशांच्या स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (मराठी) १९८६ (खंड १).

१७) गोवा दमण व दीव प्रदेशांच्या स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (मराठी) १९८६ (खंड २).

१८) गोवा लढ्यातील विरांगना (मराठी) १९८६.

१९) रवींद्रनाथ टागोर जीवन आणि प्रतिभा (मराठी) १९८७.

२०) रवींद्रनाथ टागोर जीवन आणि प्रतिभा (कोंकणी) १९८७.

२१) रवींद्रनाथ टागोर जीवन आणि प्रतिभा (इंग्रजी) १९८७.

२२) आमचें गोंय आमचे गोंयकार (कोंकणी) १९८७.

२३) नागशेरांचे सूर (कोंकणी) १९९६.

जयंती नायक

- समाजशास्त्रांत एम्.ए. (म्हैसूर विद्यापीठ),
  लोकवेदशास्त्रांत पदविका (म्हैसूर विद्यापीठ)
- गोवा कोंकणी अकादेमीच्या लोकवेद विभागांत संशोधन सहाय्यक.
- अवघ्या वर्सांभितर गोंयच्या लोकवेदाचेर विपूल संशोधन.
  - रथा तुज्यो घुडयो (आमोणेचीं धालो - गीतां)
  - कणेर खुंटी नारी (आमोणेचीं लोकगीतां)
  - तळय उखल्ली खेळ्यांनी (आमोणेचीं शिगम्याचीं गीतां)
  - मानालीं गीतां (आमोणेच्या किरिस्तांव समाजाचीं गीतां)

हीं लोकगीतांच्या संकलनाचीं चार पुस्तकां आनी

- आमोणें - एक लोकजीण

हो लोकवेदावेलो एक ग्रंथ नांवार आसा. ह्या शिवाय

- पेडणेचो दसरो.
- लोकबिंब

हीं दोन पुस्तकां उजवाडाचे वाटेर आंसात.

- राष्ट्रीय तशेंच स्थानीक पातळेर घडोवन हाडिल्ल्या लोकवेद

परिसंवादांनी प्रबंध वाचन.

- कोंकणींतली एक नामनेची कथा लेखिका.
  - गर्जन

हो कथा संग्रह उजवाडाक आयला. गोंय कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्य पुरस्कार ताका फावो जाला.